# राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2019 चो मसुदो

## सारांश

**राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाच्या मसुद्या खातीर स्थापीत केल्ली समिती**

**अध्यक्ष**

के. कस्तुरीरंगन, आदली संचालक, इस्रो, बेंगळुरु

वांगडीः

अ. वसुधा कामत, माजी कुलगुरू, एस. एन. डी. टी. महिला विद्यापीठ, मुंबय

आ. मंजुळ भार्गव, आर. ब्रँडन फ्रॅड प्रोफेसर ऑफ मॅथेमॅटिक्स, प्रिन्स्टन विद्यापीठ, यूएसए

इ. राम शंकर कुरील, आदले संस्थापक कुलगुरू, बाबासाहेब आंबेडकर समाजशास्त्र विद्यापीठ, मध्य प्रदेश

ई. टी. व्ही. कट्टीमणी, कुलगुरू, इंदिरा गांधी राष्ट्रीय आदिवासी विद्यापीठ, अमरकंटक, मध्य प्रदेश

उ. कृष्ण मोहन त्रिपाठी, शिक्षण संचालक (माध्यमीक) आनी आदले अध्यक्ष, उत्तर प्रदेश माध्यमीक आनी इंटरमीडिएट परिक्षा मंडळ, उत्तर प्रदेश

ऊ. मजहर असिफ, प्राध्यापक, पर्शियन आनी मध्य आशियायी अभ्यास केंद्र, भास, साहित्य आनी सांस्कृतीक अभ्यास विद्यालय, जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठ, नवी दिल्ली

ऋ. एम. के. श्रीधर, आदले वांगडी सचीव, कर्नाटक राज्य शोध परिशद, बंगळुरू, कर्नाटक

ऌ.

सचीव

ऍ. शकीला टी. शमसू, विशेष कार्य अधिकारी (राष्ट्रीय शिक्षण धोरण), उच्च शिक्षण विभाग, मनीसबळ विकास मंत्रालय, भारत सरकार, नवी दिल्ली

**मसुदो समितीचे** वांगडी

अ. मंजुळ भार्गव, आर. ब्रँडन फ्रॅड प्रोफेसर ऑफ मॅथेमॅटिक्स, प्रिंसटन विद्यापीठ, यूएसए

आ. के. रामचंद्रन, सल्लागार, राष्ट्रीय शिक्षणीक नियोजन आनी प्रशासन संस्था, नवी दिल्ली

इ. अनुराग बेहर, सीईओ, अझीम प्रेमजी फावंडेशन आनी कुलगुरू, अझीम प्रेमजी विद्यापीठ, बेंगळुरु

ई. लीना चंद्रन वाडिया, ऑब्झर्व्हर रिसर्च फावंडेशन, मुंबय

## दूरदृश्टी

राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2019 भारताक केंद्रस्थानी मानून अशे शिक्षण प्रणालीची कल्पना करता जी सगळ्यांक उच्च दर्जाचें शिक्षण प्रदान करून आपल्या राष्ट्राक सातत्यान न्याय वा चैतन्यमय ज्ञानी समाजांत परिवर्तीत करूंक थेट योगदान दिता

# धोरणाचो आडावो – म्हत्वाचे मुद्दे

## शालेय शिक्षण

अ. सुरवेचें बाल वस्थेंतलें शिक्षण: वयलें धोरण प्रारंभीक वर्साच्या म्हत्वाचेर भर दिता आनी 2025 वर्सा मेरेन 3 ते 6 वयो गटांतल्या सगळ्या ल्हान भुरग्यांक प्रारंभीक बाल वस्थेंत दर्जेदार निगा आनी शिक्षण दितात हाची दक्षता घेवप, हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा. हे खातीर गुंतवणुकेंत लाक्षणीक वाढ करून नवे-नवे उपक्रम राबोवपाची ह्या धोरणाच्या उद्दिश्टांनी आसपाव आसा.

आ. पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान: पयली ते पांचवी येत्ते मेरेन, प्रारंभीक भास व गणिता कडेन खास लक्ष दितले. 2025 वर्सा मेरेन, पांचवी येत्ता आनी ताचे फुडले येत्तेंत, दरेकी विद्यार्थ्याक पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान आत्मसात जाता हाची दक्षता घेतले, हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा.

इ. अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्र: शालेय शिक्षणा खातीर 4+3+3+4 रचणुकेचेर आदारीत बौद्धिक विकास आनी अध्ययनाच्या तत्त्वांचेर आदारीत एक अभिनव विकासात्मक दृश्टीन योग्य अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्र रचना विकसीत केल्या. शाळांनी विज्ञान, समाजशास्त्र, कला, भास, खेळ, गणीत आनी हेर. सगळ्या विशयांचेर समान भर दितना वेवसायीक (पेशा विशेश) आनी शिक्षणीक फांट्यांचें एकीकरण करतले.

ई. संवसारीक प्रवेश: 2030 वर्सा मेरेन विविध उपाय-येवजण्यांच्या माध्यमांतल्यान सगळ्या शालेय शिक्षणा मदीं 100% ग्रॉस ऍनरोलमॅण्ट रेशो (म्हणजेच एकूण विद्यार्थ्यां मदले, फुडल्या शिक्षणा खातीर प्रवेश घेवपी विद्यार्थ्यांचे गुणोत्तर) आत्मसात करप, हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा..

उ. न्याय आनी सगळ्यासमावेशक शिक्षण: जल्म आनी कुटुंबीक फाटभुंयेचेर संबंदीत परिस्थितींक लागून खंयचेच मुळावे शिकणाची आनी प्रगतीची एकूय संदी सोडचे नात, हाची हमी दिवपा खातीर ह्या धोरणांत कितलेशेच नियोजीत उपाय-योजना अंतर्भूत आसात. हाचेर लक्ष केंद्रीत करपा खातीर विशेश शिक्षण झोन लेगीत उबारतले.

ऊ. शिक्षक: शिक्षकांची नेमणूक सामकी सक्षम आनी पारदर्शक प्रक्रिये वरवीं करतले. शिक्षकांचे गुणवत्तेच्या निकशा प्रमाणें, बडटी दितले. कामगिरीचे बहुस्रोतांचेर आदारीत नियमीत मूल्यमापन

करतले आनी शिक्षणीक प्रशासक वा शिक्षकांचे शिक्षक जावपा खातीर श्रेणी प्रगमनाचे (प्रोग्रेशन) मार्ग उपलब्ध आसतले..

ऋ. शालेय अनुशासन: शाळांची वेवस्था आनी आयोजन, शालेय संकुलांनी (शालेय संकूल म्हणजे 10-20 शासकीय शाळांचो चोंबो वा समूह) करतले. अनुशासन आनी प्रशासनाचे हे मूलभूत एकक आसतले. हाचे वरवीं सक्षम वेवसायीक शिक्षक समुदाये वांगडा पायाभूत सुविधा (इन्फ्रास्ट्रक्चर), शिक्षणीक सुविधा (देखीक. ग्रंथालयां) आनी मनीसबळ (देखीक. कला आनी संगीत शिक्षक) अशा सगळ्या प्रकाराच्या साधनांची उपलब्धताय जाता हाची दक्षता घेतले.

ऌ. शालेय विनियमन: स्वारस्य संघर्श टाळपाच्या हेतून शाळांचें विनियमन आनी प्रचालन स्वतंत्र समित्यां वरवीं करतले. धोरण-निर्मिती, विनियमन (रेग्युलेशन), प्रचालन (ऑपरेशन्स) आनी शिक्षणीक बाबींकरिता (संदर्भांत ) सुस्पश्ट आनी स्वतंत्र प्रणाली अस्तित्वांत आसतली.

1. उच्च शिक्षण

अ. नवी संरचना (आर्किटॅक्चर): विशाल, सगळ्यासाधन-समृद्ध, चैतन्यमय बहुविध फांट्यांनी सुसज्ज संस्थां वरवीं उच्च शिक्षणा खातीर नवी दूरदृश्टी आनी संरचना (आर्किटॅक्चर) परिकल्पित केल्या. सध्या अस्तित्वांत आशिल्लीं 800 विद्यापिठां आनी 40,000 महाविद्यालयां, सुमार 15,000 उत्कृश्ठ संस्थां मदले संकलित करतले.

आ. उदारमतवादी शिक्षण: विज्ञान, कला, मानवतावाद, गणीत आनी वेवसायीक क्षेत्रांचो एकात्मीक आनी खोल अणभव मेळोवपाच्या उद्देशान पदवीपूर्व (अंडरग्रॅज्युएट) स्तराचेर व्यापक स्वरुपाचें उदारमतवादी कला शिक्षण अंमलांत हाडटले. हातूंत कल्पनाविलासी आनी लवचीक अभ्यासक्रमाची रचना, अभ्यासाचे कल्पक संयोजन, वेवसायीक शिक्षणाचें एकीकरण आनी बहुविध प्रवेश/प्रस्थान बिंदू (एंट्री/ऍक्झिट पॉयंट्स) आसतले.

इ. अनुशासन: संस्थांचें अनुशासन शिक्षणीक, प्रशासकीय आनी आर्थिक स्वायत्ततेचेर आदारीत आसतलें. प्रत्येक उच्च शिक्षण संस्था एका स्वतंत्र मंडळा कडल्यान प्रशासीत आसतली.

ई. विनियमन: आर्थिक विश्वासनीयता साध्य करपा खातीर संस्थांचें विनियमन 'सुटसुटीत पूण कडक' पद्धतीचें आसतलें आनी स्वारस्य संघर्श टाळपाच्या हेतून भौसाच्या बऱ्यापणाच्या उद्देशान करावयाची शाळांची प्रमाणीत उबारणी, वित्त-पुरवठो, प्रमाणन (ऍक्रिडिटेशन) आनी विनियमन स्वतंत्र समित्यां वरवीं करतले.

## १. शिक्षक शिक्षण

शिक्षक सज्जता कार्यक्रम अतिशय कसून घेतले आनीवयलो कार्यक्रम चैतन्यमय, बहुविध फांट्यांनी सुसज्ज आशिल्ल्या उच्च शिक्षण संस्थांनी दवरतले. बहुविध फांट्यांनी सुसज्ज आशिल्ल्या ह्या उच्च शिक्षण संस्थांनी स्तरा प्रमाणें, विशयांचेर दवरतले आनी एकत्रीत केल्ल्या 4 वर्सांचो 'बॅचलर ऑफ एज्युकेशन' हा अभ्यासक्रम पूर्ण करून पदवी संपादीत करतले, होच शिक्षक जावपाचो मुख्य मार्ग आसतलो. दुय्यम दर्जाचे आनी अकार्यक्षम शिक्षक शिक्षण संस्था बंद करतले.

## २. पेशा संबंदीं शिक्षण

सगळया प्रकाराचे पेशा-संबंदीं/वेवसायीक शिक्षण उच्च शिक्षण प्रणालीचो अविभाज्य घटक आसतलो. स्वतंत्र तांत्रीक विद्यापिठां, भलायकीशास्त्र विद्यापिठां, विधी आनी कृषि विद्यापिठां वा ह्या क्षेत्रांतलीं वा तत्सम हेर क्षेत्रांतल्यो संस्था बंद करतले.

## ३. वेवसायीक शिक्षण

वेवसायीक शिक्षण सगळया प्रकाराच्या शिक्षणाचो अविभाज्य घटक आसतलो. 2025 मेरेन सगळे शिकाउ विद्यार्थ्यां मदीं उण्यांत 50% विद्यार्थ्यांक वेवसायीक शिक्षणाचो लावमेळचो अशें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा.

## ४. नॅशनल रिसर्च फावंडेशन

पुराय देशांत संशोधन आनी नवकल्पना सारक्या गजालींचो नेटान आनी वेगान जावचो आनी ह्या हेतून नव्या संस्थांची स्थापना करतले.

**शिक्षणांत तंत्रज्ञान**

वर्गांतली शिक्षण प्रक्रिया सुदारपा खातीर, शिक्षकांच्या वेवसायीक विकासांत साहाय्य करूंक, वंचित वा दुर्लक्षीत गटांक मेळपी शिक्षणाच्यो संदी वाडोवपा खातीर आनी शिक्षणीक नियोजन, प्रशासन आनी वेवस्थापन सुसूत्रबद्ध करूंक शिक्षणाच्या सगळ्या पांवड्यांचेर योग्य पद्धतीन तंत्रज्ञानाचो आसपाव करप, हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा.

५. **प्रौढ शिक्षण**

तरणाट्यां मदीं आनी प्रौढां मदीं 100% साक्षरता साध्य करप हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसा.

६. **भारतीय भासांक चालना**

हें धोरण सगळ्या भारतीय भासांचें संवर्धन, वृद्धी आनी चैतन्य अबाधित आसा हें सुनिश्चित करतलें.

७. **शिक्षणा खातीर वित्त पुरवठो**

सार्वजनीक शिक्षणाचो विस्तार आनी पुनरुज्जीवन करूंक व्हड प्रमाणाचेर सार्वजनीक क्षेत्रांतल्यान गुंतवणूक करतले.

८. **राष्ट्रीय शिक्षण आयोग**

प्रधानमंत्रीचे अध्यक्षते खाला राष्ट्रीय शिक्षण आयोग वा नॅशनल एॅज्युकेशन कमिशनाची स्थापना करतले. हो आयोग भारतांत शिक्षणीक दूरदृश्टीचो परिरक्षक (कस्टोडियन) आसतलो.

# धोरणाचो तपशील – म्हत्वाचे मुद्दे

# शालेय शिक्षण

## १. **प्रारंभीक बाल वस्था निगा** आनी **शिक्षणाचें सबलीकरण**

**उद्देश:** 2025 वर्सा मेरेन 3-6 वर्सां पिरायेच्या दरेकी भुरग्याक सुरक्षीत, उच्च दर्ज्याचें, विकासात्मक दृश्टीन योग्य आशिल्लें निगा आनी शिक्षण फुकट दितले.

वयर उल्लेख केल्लें धोरण भुरग्यांचे जिणेंतलें प्रारंभीक बाल वस्थेंतल्या शिक्षणाच्या म्हत्वाचेर आनी ह्या शिक्षणाक लागून व्यक्तीक पुराय जिवीतभर जावपी फायद्यांचेर भर दिता. स्थानीक गरजो, भुगोलीकता आनी सध्याच्यो मुळाव्यो सुविधा ह्या विशीं बहुआयामी दृश्टीकोण दवरिल्ल्यान प्रारंभीक बाल वस्थेंतलें शिक्षणा खातीरउपलब्ध आशिल्ल्या **सुविधांचो** म्हत्वपूर्ण **विस्तार आनी सबलीकरण** जातलें.

अ. विशेषतः सामाजीक-आर्थिक दृश्टीनवंचित आशिल्ले जिल्ले/ठिकाणां कडेन खासा लक्ष दितलेआनी तांकां प्राधान्य दितले. दर्जोआनी निष्पत्तीची योग्य देखरेख करपा खातीर प्रक्रिया अस्तित्वांत हाडटले.

आ. शिक्षक आनी पालक ह्या दोगांचेय दृश्टीन विचार करून प्रारंभीक बाल वस्थेंतलें शिक्षणा खातीर अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्र हाचो आराखडो विकसीत करतले. ह्या आराखड्यांत 0-3 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या भुरग्यांक  योग्य आकलनात्मक उत्तेजन दिवपा खातीर पूरक मार्गदर्शक सूचना आनी 3-6 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या भुरग्यां खातीर पूरक शिक्षणीक मार्गदर्शक सुचोवण्यांचोय आसपाव आसा.

इ. स्तरा प्रमाणें प्रशिक्षण, मार्गदर्शन (मँटरींग) आनी निरंतर वेवसायीक विकास आनी कारकीर्द आराखडो (करियर मॅपिंग) हांची संद उपलब्ध जावची ह्या खातीर सुरवेक बाल वस्थेंतल्या शिक्षणांत अध्यायन-सुलभ वातावरण निर्मिती आनी उच्च दर्जेदार शिक्षकांच्या वेवसायीकरणूय करतले.

ई. (सध्याचें 'मनीसबळ विकास मंत्रालया'चें नांव बदलून 'शिक्षण मंत्रालय' करतले.) आनी प्रारंभीक बाल वस्थेंतल्या शिक्षणाचे सगळे पैलू आनी घटक **शिक्षण मंत्रालयाच्या** कार्यकक्षेंत येतले. ताचो परिणाम म्हणल्यारः, सुरवेक बाल वस्थेंतलें शिक्षण उर्वरीत शालेय शिक्षणा कडेन जोडटले. संबंदीत हस्तांतरण आराखड्याक (ट्रांझिशन प्लॅन) शिक्षण मंत्रालय, बायलां आनीभुरगीं विकास मंत्रालय आनी भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालया कडल्यान 2019 वर्साचे अखेरेक मेरेन संयुक्त रितीन निमाणें स्वरूप दितले.

उ. संबंदीत नियमांचें अनुपालन जाता हाचीहमी मेळोवंक सगळेंशालेयपूर्व शिक्षण प्रदान करपी (खासगी, शासकीय आनी धर्मादायी) संस्थांक प्रभावी **दर्जेदार विनियमन वा प्रमाणन (ऍक्रिडिटेशन) प्रणाली** निर्माण करतले.

ऊ. आपल्या भुरग्यांचो शिक्षणीक गरजो सक्रियपणान साहाय्य करपाच्या हेतून पालकांक सक्षम करपा खातीर व्यापक पुरस्कार (ऍडव्होकसी) आनी उपलब्ध माहितीचो मोठ्या प्रमाणान प्रसार करून वांटेकार जावपी **भागिदारां कडल्यान (स्टेकहोल्डर्स) मागण्यो** निर्माण करतले.

ऋ. 3-6 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या सगळ्या भुरग्यां खातीर फुकट आनी सक्तीचें दर्जेदार शिक्षण उपलब्ध आसा हाची दक्षता घेवपा खातीर **'शिक्षणाचो अधिकार अधिनियम, 2009' ('द रायट टू एज्युकेशन ऍक्ट, 2009')** चो विस्तार करतले.

1. सगळ्या भुरग्यांक मुळावी **पायाभूत साक्षरता** आनी **अंकज्ञान आत्मसात** जाता कांय ना हाची **दक्षता**

**उद्देश:** 2025 वर्सा मेरेन, पांवची येत्ता आनी फुडले येत्तेच्या प्रत्येक विद्यार्थ्याक पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान आत्मसात करप.

हें धोरण प्रारंभीक भास आनी गणिताचे संबंदीत गंभीर अध्ययन समस्या जाणवतात आनी तांचें निवारण करूंक, सर्वोच्च प्राधान्य प्रदान करप.

अ. पोशण आनी अध्ययन एकमेकां कडेन घनिष्टपणे संबंदीत आसात. मदले सुटयेच्या जेवणाचो **कार्यक्रमाचो विस्तार** करतले – पूर्वप्राथमीक आनी प्राथमीक शालेय विद्यार्थ्यांक पोषक नाश्तो आनी मदले सुटयेचें जेवण ह्यो दोनूय गजाली पुरवण करतले.भुरग्यांक सदांच दर्जेदार अन्न दिवचें म्हूण कार्यक्रमाचो खर्च तत्कालीन अन्न-खर्च आनी म्हारगाये कडेन जोडटले.

आ. पयली येत्ता ते पांचवी येत्तेंत प्रारंभीक **भास** आनी गणिता कडेन **विशेश ध्यान** दितले. पयली ते पांचवे येत्तेच्या विद्यार्थ्यांक पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान आत्मसात जावचें म्हूण आनी तशेंच मूल्यमापन आनी दर्जेदार साहित्य उपलब्ध करून दिवपा खातीर सशक्त प्रणाली उभी करपाचेर वाढीव लक्ष केंद्रीत करतले. राष्ट्रीय शिक्षक पोर्टलाचेर भास आनी गणीत साहित्याचो राष्ट्रीय पांवड्यार संग्रह (रिपॉझिटरी) उपलब्ध करतले.

इ. शिक्षकांक शिकयतना सोयीस्कर जावचें म्हूण उपयुक्त तांत्रिक साहित्य आनी साहाय्य पुरवण करपाची चांचणी घेतले आनी वाचन आनी संवादाची संवय आनी संस्कृतीची बांदणी करपाच्या हेतून सार्वजनीक आनी शालेय ग्रंथालयांचो विस्तार करतले.

ई. पयली येत्तेच्या सगळ्या विद्यार्थ्यां खातीर तीन महिन्यांचो कालावधी आशिल्लो **'शालेय पूर्व-तयारी अभ्यास'** आयोजीत करतले.

उ. पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञानाचेर नव्यान भर दिवपाच्या उद्देशान **शिक्षक शिक्षणाची पुनर्रचना** करतले.

ऊ. (सहयोगी शिक्षकां खातीर) **राष्ट्रीय शिक्षक कार्यक्रम** आनी (समुदायेंतल्या आरेखन निर्देशकां खातीर) **दोषनिवारक निर्देशन साहाय्य कार्यक्रम (रिमेडिअल इंस्ट्रक्शनल एड्स प्रोग्राम)** सुरू करतले.

ऋ. दरेकी शालेय पांवड्यार **विद्यार्थी – शिक्षकांचो** गुणोत्तर 30:1 असो आसतलो, हाची खात्री करतले..

ल्ट. **समाजसेवक** आनी **समुपदेशक** सगळया भुरग्यांची मानसीक भलायकी अबादीत राखप, भुरगे शाळा सोडून वचनात, **पालकांचो** सह्भाग आनी **स्थानीक समुदायांची** जमवाजमव करपाची खात्री दितले. तशेच पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान संबंदीत धोरणांची उद्दिश्टां पूर्ण करूंक, **स्वयंसेवकांचो** वापर करतले.

2. सगळया पांवड्या वयल्या **शिक्षणांत** सगळयांक **वैश्विक प्रवेश** आनी तांकां **शिक्षणप्रवाहात** तिगोवन दवरप

**उद्देश:** वर्सा 2030 मेरेन, 3-18 वर्सां पिरायेच्या सगळया भुरग्यांक फुकट आनी सक्तीचें दर्जेदार शालेय शिक्षणांत प्रवेश मेळोवन शिक्षणांत तांचो वांटो आसतलो.

अ. भुरग्यांचो शाळेंत जावची प्रवेश वा मात्रिकूल वाडटा जाल्यार लेगीत, भुरग्यांची शाळेंतल्यान जावपी गळटी, आमचे कडेन थांबोवंक जायना, हाचो हुस्को ह्या धोरणाक जाता. 2030 वर्सा मेरेन विविध उपाय-योजनांच्या माध्यमांतल्यान शालेय-पूर्व काळा-पासून ते माध्यमीक शिक्षणा मेरेन 100% **ग्रॉस ऍनरोलमँट रेशो** साध्य करपाचो आसा.

आ. शाळेंत भुरग्यांचे भरतीचे संख्येंत वाढ करप, ज्या सुवातांनी शालेय सेवा आयज मेरेन दिवंक नाशिल्ली वा कमी प्रमाणांत उपलब्ध आशिल्ली, असल्या सुवातांनी नवी सुविधा विकसीत करप, आनी सगळया विद्यार्थ्यां कातीर, खास करून चलयां खातीर, संपूर्ण सुरक्षेची हमी दिवन, शाळेंत यो-वच करूंक दळणवळण सेवा आनी वसतिगृहाची सेवा आवश्यकते प्रमाणें उपलब्ध करून दिवप, अशा उपाय-योजनांतल्यान शालेय **प्रवेशाची दर** कमी करपाचो विचार आसा.

इ. शाळेंत प्रवेश वा मात्रिकूल केल्ल्या भुरग्यांची दीसपट्टी हजेरी आनी अध्ययनाचे निष्पत्तीचो आडावो घेवप, तशेच शिक्षक, समाजसेवक आनी स्वयंसेवकां मार्फत शाळेंतल्यान गळटी जावपी वा शाळेंत ना-वचपी भुरग्यांचेर संख्येचेर पाळो दवरप आनी शाळे भायरूय तरणाट्यां खातीर कार्यक्रम राबवून भुरग्यांचो शालेय **शिक्षणांतलो सहभाग** आनी **अध्ययन** वाडयतले. औपचारीक आनी अनौपचारीक शिक्षणीक माध्यमांतल्यान अध्ययनाचे वेग-वेगळे मार्ग उपलब्ध करून दितले आनी वांगडा उक्तें शालेय शिक्षण (ओपन स्कूलिंग) वा पयसुल्ल्यान शालेय शिक्षण (डिस्टन्स स्कूलिंग) वा तंत्रज्ञान मंच वापरपाचीं साधनांचें सबलीकरण करतले.

ई. भलायकेच्या कारणाक लागून जरी विद्यार्थी शाळेंत हाजीर रावूंक शकना जाल्यार, ताका **त्वरित** शाळें **रुजू** करूंक **आवश्यक** आशिल्ली **उपाय-योजना** करतले. तातूंत शाळेंत भलायकी सेवकांची नेमणूक करतले, तशेंच ह्या विशयाचेर विद्यार्थी, पालक आनी व्यापक प्रमाणाचेर समाजांत जनजागृती करप आनी तांकां योग्य भलायकी सेवां कडेन संपर्क करून दिवप हांचो आसपाव आसा.

उ. **शिक्षणाचो अधिकार अधिनियमाच्या** अनुपालनाच्या आवश्यक बाबी आनी अटी **शिथिल** करतले आनी ताच्या वांगडा (शारिरीक आनी मानसीक) सुरक्षा, प्रवेश आनी आसपाव, नफाविरत तत्वांचेर शाळांचें प्रचालन आनी अध्ययनाची निष्पत्तीची किमान मानका विशीं खातरजमा करतले. हाका लागून

स्थानीक पांवड्यार गरजे प्रमाणें बदल करून वा पर्यायी विकल्प उपलब्ध करून शासकीय आनी गैरशासकीय संस्थां खातीर शाळा सुरू करप सुलभ करतले.

ऊ. **शिक्षणाचो अधिकार अधिनियमाचो विस्तार** करून शालेयपूर्व शिक्षणा सावन बारावी येत्ते मेरेन फुकट वा सत्तीचें शिक्षण उपलब्ध करून दितले.

### 3. **शालेय शिक्षणा** खातीर **अभिनव अभ्यासक्रम** आनी **अध्यापनशास्त्राची** रचणूक

**उद्देश:** पाठ करून घेवन अध्ययन कमी करून ताच्या बदलाक सर्वांगीण विकास आनी शोधक विचारक्षमता, सर्जनशीलता, शास्त्रीय मनन, सुसंवाद, परस्पर-सहकार्य, बहुभाशिकता, समस्या निवारण, नितीतत्वां, सामाजीक बांधिलकी आनी अंकीय साक्षरता अशा 21व्याशेंकड्यांत अभिनव कौशल्यांचेर आदाररीत अध्ययनाक चालना दिवपा खातीर2022 वर्सा मेरेन अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्रांत परिणामकारी बदल करप.

सध्याच्या शालेय शिक्षणाचो अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्र अध्ययनार्थींच्या विकसनाच्या विविध टप्प्यांचेर तांच्यो गरजो आनी कल हांचे कडेन सुसंगत जावपा खातीर अभ्यासक्रमाची आनी अध्यापनशास्त्राची पुनर्रचना करतले.

अ. ताका लागून सध्याच्या शालेय शिक्षणाचो अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्रांची रचणूक आनी शालेय शिक्षणाच्या अभ्यासक्रमाचो आराखडो 5+3+3+4 मांडावळी प्रमाणें करतले:

- पायाभूत स्तर (पिराय 3-8 वर्सां): शीघ्र बौद्धिक विकास; खेळ आनी सोदाचेर आदारीत अध्ययन
- तयारीचो स्तर (पिराय 8-11 वर्सां): खेळ आनी सोद हांचेर आदारीत बांदणी; रचनात्मक अध्ययना कडेन संक्रमणाची सुरवात
- मदलो स्तर (पिराय 11-14 वर्सां): विशयांतली संकल्पना शिकोवप; तरणाटे पिरायेची वाटचाल सुरवात
- दुसरो स्तर (पिराय 14-18 वर्सां): उपजिविका आनी उच्च शिक्षणा खातीर तयारी; तरणाट्याचें प्रौढा कडेन संक्रमण

आ. दुसऱ्या स्तरांत चार वर्सांचो बहुशाखीय अभ्यासक्रम आसतलो आनी तातूंत विशयातील खोली, शोधक विचारक्षमता, जिणेंतल्या म्हत्वकांक्षां कडेन ध्यान दिवपाची तांक विकसीत करतले आनी तातूंतल्यान विद्यार्थ्यांक विशयाची निवड करूंक वाव आसतलो.

इ. सर्वांगीण अध्ययनार्थी विकसीत करपाचेदृश्टीन शालेय शिक्षणाचें साहित्य आनी प्रक्रियेची पुनर्रचना करतले. अभ्यास चडूचखोलायेन जावंकवा प्रायोगीक अध्ययन चड प्रमाणांत जावचो ह्या खातीर **अभ्यासक्रमाचो भार** थोडोसो कमी करून तो म्हत्वाची संकल्पना आनी आवश्यक कल्पना हांचे पुरतीच मर्यादीत दवरतले.

ई. भास, शास्त्रीय मनन, सौंदर्यशास्त्र आनी कलेची जाण, सुसंवाद, नैतीक कारण मिमांसा, अंकीय साक्षरता, भारता विशयी ज्ञान, स्थानीक समुदाय, देश वा संवसाराक भिडपी वा लागपी गंभीर वा म्हत्वाच्यासमस्यांचें ज्ञान जातूंत प्रभुत्व प्राप्त करपा खातीर सगळ्या विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन दितले..

उ. **अभ्यासक्रम लवचीक** आसतलें जातूंत अभ्यासक्रमांतर्गत, सह-अभ्यासक्रम वा अभ्यासक्रमा भायर असो वा कला आनी विज्ञान असो वा 'वेवसायीक' वा 'शिक्षणीक' असो स्पश्ट भेद आसचो ना. हाका लागून विद्यार्थ्यांक दुसरे शालेय स्तरा वेळार विशय बदलपाची संदी व पर्याय उपलब्ध आसतलो.

ऊ. उण्यांत पांचवी येत्ता वा शक्य आसल्यार आठवी येत्ते मेरेन शिक्षण **स्थानीक भाशेंत**/आवय भाशेंतल्यान आसतलें आनी गरजे प्रमाणें लवचीक भास (द्विभास) दृश्टीकोन अंमलांत हाडटले.

ऋ. गरजे प्रमाणें वाशक्य आसत थंय उच्च दर्जाचीं पाठ्यपुस्तकां स्थानीक भाशेंतल्यान उपलब्ध करून दितले आनी दिव्यांग विद्यार्थ्यां खातीर आवश्यक शिक्षणीक साहित्य विकसीत करतले.

ऌ. संपूर्ण देशभरांत **त्रिभाशीय सूत्र** खूब येत्न घेवन चालीक लायतले. भाशा शिक्षक विकसीत करून तांची नेमणूक करपा खातीर विशेश उपाय-योजना करतले.

ऍ. सवी येत्ता ते आवठी येत्ते मेरेन, सगळ्या विद्यार्थ्यांक वेवसायीक कौशल्य व कलाकुसर ह्याविशयी संपूर्ण एका वर्षाचें सर्वेक्षण (सर्व्हे) कोर्स करूंक पडटलो. हाका लागून शालेय शिक्षणा वेळार भुरग्यांक वेवसायीक **क्षेत्राचो अणभव** मेळूंक सुरवात जातली.. णवी येत्ता ते बारावी येत्ते मदल्या भुरग्यांक पारंपरीक शिक्षणीक विशयां वांगडाच वेवसायीक विशयांची निवड करपाची संदी मेळटली. तातूंतल्यान भुरग्यांक दोनूय प्रकाराचे अभ्यासक्रम मिश्र पद्धतीन निवडपाची सूट आसतली.

ऐ. 2020 वर्साचे अखेरेक मेरेन, **राष्ट्रीय अभ्यासक्रम आराखड्याची पुनर्रचना करून** तातूंत **सुदारणां** करून तो सगळ्या प्रांतीय भासांनी उपलब्ध करून दितले. नवीं **पाठ्य-पुस्त**कां विकसीत करतले आनी तांचें उच्च दर्जाचें **भाशांतर निर्माण** करतले.

ऑ. **विद्यार्थ्यांच्या** विकासाक सहाय्य मेळटलो अश्या प्रकारान **मूल्यमापन**नात मदीं परिणामकारी बदल घडयतले. (बोर्डाच्यो परिक्षा लेगीत) सगळयो परिक्षा भुरग्यांचीमूळ संकल्पना आनी कौशल्य आनी ताच्या वांगडाच उच्च-स्तरीय तांक वा क्षमता तपासतले. 2025 वर्सा मेरेन मध्य-स्तरीय वा त्या सगळ्या शालेय शिक्षणाचें मूल्यमापन अनुकुलक संगणकीय चांचणी (ऍडाप्टिव्ह कम्प्युटरायज्ड टॅस्टिंग) पद्धतीन करतले. 2020/ 2021 वर्सा सावन, फुडल्या वर्सा भरांत शाळांनी विविध बुद्धिमापन चांचणी आनी नव्या नव्या विशयांचेर चांचणी घेतले आनी स्वायत्त राष्ट्रीय चांचणी संस्थे कडल्यान ह्या चांचण्यांचें प्रशासन करतले.

ए. विद्यार्थ्यां मदीं **असामान्य प्राविण्य** आनी **स्वारस्य** सोदतले आनी शाळा ते जिल्लो स्तरीय संस्था, निवासी वासंतीक कार्यक्रम, ऑलिंपियाड्स आनी सर्तींचे मार्फत विशयांचेर वा प्रकल्पाचे पद्धतीन तांचें विकसन करतले.

## 4. शिक्षक – बदलाचे प्रणेते

**उद्देश:** शालेय शिक्षणाच्या सगळया स्तरांच्या सगळया विद्यार्थ्यांक व्यासंगी, उत्स्फूर्त, उच्चशिक्षीत, वेवसायीक दृश्टीन प्रशिक्षीत आनी सुसज्ज शिक्षकां कडल्यान शिकयतात, हाची दक्षता घेतले.

ह्या धोरणा प्रमाणें शिक्षक 'समाजांतली सगळयांत म्हत्वाची व्यक्ती आसा आनी भविश्यांतले अपेक्षीत बदलाचे प्रणेते' आसात. दर्जेदार शिक्षण दिवपा खातीर करपी खंयच्या प्रयत्नाचें यश शिक्षकांचे गुणवत्तेचेर अवलंबून आसतलें.

अ. वंचित, ग्रामीण आनी आदिवासी भागांतल्या हुशार विद्यार्थ्यांक चार वर्सांचो एकीकृत केल्लो बी.एॅड. अभ्यासक्रम घेतात, तांचे खातीर **गुणवत्तेचेर आदारीत शिश्यवृत्ती** प्रदान करतले. कांय बाबतींत,तांकां तांच्या स्थानीक भागांत रोजगाराची हमी दितले. विशेषतः विद्यार्थिनीचेर खासा लक्ष केंद्रीत करतले.

आ. सगळया शाळांतल्या **शिक्षकांची नियुक्ती** 'सगळया समावेशक शिक्षक आवश्यकता नियोजन' हाचेर आदारीत कडक वा नियमबद्ध प्रकियेंतल्यान करतले. अशे निवडी वेळार उमेदवारां मदीं वैविध्य राखपा वांगडाच स्थानीक शिक्षकांक वा स्थानीक भाशेचेर प्रभुत्व आशिल्ल्यांक प्राधान्य दितले. हातूंतली पयली पायरी म्हणजे पुनर्रचना करूंक आयिल्ल्या शिक्षक पात्रताय चांचणींत(टीचर एॅलिजिबिलिटी टॅस्ट) उत्तीर्ण जावप. त्या उपरांत मुलाखत घेतल्या उपरांतवांगडाच अध्यापनाचे प्रात्यक्षीक सादर करपाची गरज आसतली. हालींच खुबश्या राज्यांनी केल्ल्या प्रमाणें, शिक्षकांची नियुक्ती जिल्लो स्तराचेरकेल्ली आनी तांची नेमणूक शालेय संकुलांनी करतले. अशा शिक्षकांचे सेवेची कालमर्यादा निश्चित स्वरुपाची आसतली आनी तंत्रज्ञानाचेर आदारीत पारदर्शक प्रणाली प्रमाणें नियमा प्रमाणें तांच्यो बदली करतले ग्रामीण भागांत शिकोवंक प्रोत्साहीत करपाच्या हेतून शिक्षकांक आर्थिक आनी इतर पद्धतीचे लाभ दितले.

इ. 2022 वर्सा मेरेन, देश भरांत **'शिक्षक सेवक'** वा **'पॅरा टिचर्स'** (अपात्र, कंत्राटी शिक्षक) नियुक्त करपाची प्रक्रिया बंद करतले.

ई. **निरंतर शिक्षक** वेवसायीक **विकास** अतिशय लवचिक आनी विभागाचेर रचना केल्ल्या अभ्यासक्रमाचेर आदारीत आसतली.. हातूंत स्वता किदें शिकपाचें आसा आनी कश्या प्रकारान शिकपाचें आसा, हें सगळें शिक्षक थारावूंक वा निवडूंक शकतले. शिक्षकपदार नव्यान काम करूंक सुरवात केल्ल्याउमेदवारां खातीर खास वळख सत्र (इंडक्शन) आयोजीत करतले आनी तांचे प्रगतीचें मूल्यमापन करपाचीप्रक्रिया अस्तित्वांत हाडटले. पसंती प्रमाणें वेवसायीक विकास तसोच प्रत्येक शिक्षकाच्या वेवसायीक

कारकिर्दीच्या आलेखाचें मूल्यमापन करूंक मेळचें ह्या खातीरर सगळया राज्यांनी तंत्रज्ञानाचेर आदारीत प्रणाली अस्तित्वांत हाडप. हाचो अभ्यासक्रम थारावपाची कसलीच मध्यवर्ती पद्धती आसची ना तशेच कॅस्केड मॉडेल पद्धतीचें प्रशिक्षण आसचें ना आनी कडक नियम लेगीत आसचे नात. अशा कार्यक्रमांत प्रशिक्षण दिवपी प्रशिक्षक काळजीपूर्वक निवडटले, आनी तांकां प्रभावीपणान प्रशिक्षण दितले आनी तांचे भुमिके खातीर कालावधी आसतलो.

उ. **शिक्षकांच्या कार्याचें सुलभीकरण** जावपा खातीर अपेक्षीत विद्यार्थी – शिक्षक गुणोत्तरा वांगडाच पुरेशा पायाभूत सुविधा (इन्फ्रास्ट्रक्चर), सुविधा आनी अध्ययन साहित्य पुरवण करतले. सगळे विद्यार्थी योग्य अध्ययन करतात कांय ना ह्या विशीं शिक्षकांक खात्री करता म्हणून सगळया स्तरांवर दोशनिवारक कार्यक्रम (रिमेडिअल प्रोग्रॅम्स) निर्माण करतले.

ऊ. शालेय कामकाजाच्या वेळांत शिक्षकांच्या **अध्यापन कार्यांत** कसल्याच **स्वरुपाचें व्यत्यय** उपकारना. (देखीक. मदले सुटयेचें जेवण करप, शाळे खातीर साहित्य जमोवप आनी हेर) उलटपक्षी, निश्कारणवा रजा मंजूर नासतना, शाळेंतल्यान अनुपस्थीत रावल्यार शिक्षकांक जबाबदार धरतले.

ऋ. प्रत्येक **मुख्याध्यापक** आनी/**वा शाळेचे प्राचार्य सुदृढ शालेय विकास प्रक्रिया** आनी **सहाय्यक शालेय संस्कृती निर्माण** करूंक जबाबदार आसतले. अशा प्रकाराची संस्कृती शाळेंत रुजोवंक सहाय्य दिवपा खातीर, शालेय वेवस्थापन समितीक समजावून सांगतले आनी शालेय शिक्षण संचालनालयातल्या अधिकारी ह्या विशीं समितीच्या वांगड्यांकउपयुक्त वा फावो ती माहिती वा प्रशिक्षण दितले.

ऌ. सगळया विद्यार्थ्यांचो शिक्षण प्रवाहांत आसपाव करूंक शिक्षकां खातीर वा शिक्षकांच्या प्रशिक्षकां खातीर भारतीय भासांतल्या **उच्च दर्जाच्या साहित्याची निर्मिती** करूंक प्राधान्य दितले.

ऍ. सगळया विद्यमान शिक्षणीक सहाय्य संस्थांचें सबलीकरण करपा खातीर काळजीपूर्वक नियोजन करून शिक्षणीक सहाय्य **संस्थांचें पुनरुज्जीवन** करूंक प्राधान्य दितले.

ऎ. अध्यापन कार्याचीं किमान विशिश्ट वर्सां पूर्ण केल्या उपरांत त्या अणभवाच्या नेटार, शिक्षक शिक्षणीक **प्रशासन वा शिक्षकांच्या प्रशिक्षण** कार्यांत योगदान दिवंक शकतले. फुडाराचो (दूरगामी) विचार करतना, सगळया शिक्षणीक प्रशासकीय पदां फकत उत्तम शिक्षक आसपी वा प्रशासनांत रस आसपी उमेदवारां खातीरूच राखीव दवरतले.

## 5. देशांतल्या दरेकी भुरग्या खातीर **न्याय्य** आनी सगळ्या **समावेशक शिक्षण**

जल्म आनी कुटुंबीक फाटभुंयेचे संबंदीत परिस्थितीत लागून भारतांतल्या एकूय भुरग्यान शिकपाचें वा प्रगतीची खंयचीच संदी चुकोवची न्हय आनी भारतांतल्या सगळ्या भुरग्यांक फायद्याची थारतली अश्या प्रकाराची शिक्षण प्रणाली घडोवप ही ह्या धोरणाचें म्हत्वाचें उद्दिश्ट आसा.

**उद्देश:** सगळ्या भुरग्यांक अध्ययनाची वा उत्कर्शाचीसमान संदी मेळूंक आनी 2030 वर्सा मेरेन सगळ्या लिंगाच्या वा सामाजीक वर्गवारीच्या सहभागांत वा अध्ययनाचे निश्पत्तींत समानता आसचीह्या उद्देशान एक सगळ्या समावेशक वा न्याय्य शिक्षण प्रणाली अस्तित्वांत हाडप.

अ. **कमी प्रतिनिधित्व** आशिल्ल्या **गटां** मदीं **वा वंचित** भुरग्यांचे **बाब**तींत सुरवेक बाल वस्थेंतलें शिक्षण, पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान, शालेय उपलब्धताय, शालेय प्रवेश आनी उपस्थिती हांचे यांच्याशी संबंदीत आशिल्ल्या धोरणांतले कृती कडेन खासा **लक्ष** वा **सहाय्य** पुरवण करतले.

आ. देश भरांतल्या वंचित प्रदेशांनी **विशेश शिक्षण झोन्स** उबारतले. स्पश्ट सामाजीक विकास आनी सामाजीक आर्थिक निदर्शक (इंडिकेटर) हांच्या आदारान राज्यांतल्या अशा प्रकाराचे झोन्स घोशीत करपा खातीर राज्य शासनास प्रोत्साहीत करतले. तशेच राज्य शासनान खर्च केलेल्या प्रत्येक रुपयाक केंद्र शासन 2:1 गुणोत्तरा प्रमाणें आर्थिक सहाय्य पुरवण करतले. कमी प्रतिनिधित्व आशिल्ल्या गटांच्या वा वंचित गटांच्या आसपावा विशीं वयल्या धोरणांत नमूद केल्या प्रमाणें ह्या झोनांनी नियोजीत पद्धतीन कृती करप आनी ते विशीं केंद्र शासन आनी राज्य शासन हांची संयुक्त रितीन कसून देखरेख करप, ही म्हत्वपूर्ण कल्पना आसतली.

इ. ह्या धोरणांतले कांय **ठळक उपक्रम** फुडें दिल्ले प्रमाणें आसात

ई. : **शिक्षकां**क वारंवार प्रशिक्षण दिवन तांचें ज्ञान आनी कौशल्य अद्यावत दवरप, शिक्षणीक दृश्टी कमी प्रतिनिधित्व आशिल्ल्या गटां मदल्यावा वंचित गटां मदल्या शिक्षकांचे भरती खातीर पर्यायी मार्ग उगडप, ज्या शाळांनी शिक्षणीक दृश्टी कमी प्रतिनिधित्व आशिल्ल्या गटां मदल्या वा वंचित गटां मदल्या अध्ययनार्थींचें प्रमाण चड आसा, थंय **विद्यार्थी शिक्षक गुणोत्तर** 25:1 परस चड ना तांची दक्षता घेवप, छळ, धमक्यो वा लिंग आदारीत हिंसा ह्या विशयी उपाय-योजना करपी यंत्रणा स्थापीत करून सगळ्या **समावेशक शालेय वातावरण** निर्माण करप, बहिश्कार घालपाची कृती बंद करप, सगळ्या समावेशक करण्याचे नदरेन **अभ्यासक्रमां**त सुदारणां करप.

उ. राष्ट्रीय शिक्षणीक माहिती संग्रहांत (नॅशनल रिपॉझिटरी ऑफ एॅज्युकेशनल डेटा) प्रत्येक विद्यार्थ्यांची संपूर्ण वा अद्यावत केल्ली माहिती सांबाळून दवरतले. केंद्रीय शिक्षणीक सांख्यिकी विभागा कडल्यान (सँट्रल एॅज्युकेशनल स्टॅटिस्टिक्स डिव्हिजन) वयले **माहितीचें विश्लेशण** करतलें.

ऊ. शिश्यवृत्ती, कमी प्रतिनिधित्व आशिल्ल्यागटां मदल्या वा वंचित गटां मदल्या विद्यार्थ्यां खातीर साधन आनी सुविधा विकसीत करप, सगळ्या समावेशना खातीर आनी जिल्लो वा संस्थां मदीं प्रवेशा खातीर विशेश आर्थिक सहाय्य वा आदार दिवप अशें विधायक उपक्रमांकरिता खास निर्माण केल्ल्या राष्ट्रीय निधी मार्फत **वैयक्तीक विद्यार्थ्यांक आर्थिक सहाय्य** ह्या धोरणांतल्यान दितात.. सहाय्याच्या पर्यायी मार्गांतल्यान राष्ट्रीय अध्यापन कार्यक्रमा मदीं वा दोशनिवारक सूचना साधन कार्यक्रमा मदीं भरती, मदले सुटयेचें जेवणा वांगडा अतिरिक्त नाश्तो आनी विशेश इंटर्नशिप संदीचो आसपाव आसता.. सगळ्या **समावेशक शिक्षणा वरवीं संशोधनाकूय** आर्थिक सहाय्य उपलब्ध करून दितले.

ऋ. शालेय शिक्षक वा विद्यार्थिनी मदीं **लिंग असमानतेचेर** उपाय-योजना करपा खातीर अस्तुऱ्यांचो वांटो वा सहभाग वा चलयांक शिक्षण प्रदान करप, शासनान **आदिवासी, जातीनिहाय** आनी **धर्मनिहाय समू**हा मदल्या भुरग्यां खातीर येवजिल्ले सगळे लाभ तांचे मेरेन पावतात कांय ना हाची दक्षता घेवपा खातीर तांकां शिक्षण प्रदान करप, शारी वाठारांतल्या **गरीब कुटुंबां** मदल्या विद्यार्थ्यांक योग्य जीवनमान मेळचे म्हूण तांकां शिक्षण प्रदान करप, **दिव्यांग** तशेच **तृतीयपंथी** भुरग्यांक शिक्षण प्रदान करप, त्याच बरोबर परिसरांतल्या शाळांनी पायाभूत स्तरा पासून ते बारावी येत्ते मेरेनच्या मुख्य प्रवाहांतल्या भुरग्यांचेर निरंतर आनी चड उमेदीन लक्ष केंद्रीत करप, हीं सगळीं वयल्या धोरणांचीं टळक उद्दिश्टां आसात.

## 6. शालेय संकुलाच्या माध्यमांतल्यान शालेय शिक्षणांत अनुशासन

**उद्देश:** उपलब्ध साधनां एकमेका वांगडा वांटून घेवप आनी शालेय अनुशासन चड स्थानीक, प्रभावी आनी कार्यक्षम जावचें ह्या उद्देशान शाळांनी 'शालेय संकुलां'मदीं गटबद्ध केल्यांत.

सध्या अनेक शासकीय शाळांनी, खास करून ल्हान शाळांनी, साधनांचो उणाव जाणवता अशी समस्या वा अडचण दिसून आयल्या. शालेय संकुलांची उबारणी केल्ल्यान, हो प्रश्न सुटावो जातलो. खुबश्या शाळांचें भुगोलीक स्थलांतर करिनासतना त्यो एकाच संस्थात्मक वा प्रशासकीय पाख्या खाला हाडटले. ताका लागून भुरग्यां खातीर कसलीच तडजोड वा गैरसोय निर्माण जायना असल्यो सामक्यो प्रभावी आनी कार्यक्षम प्रशासकीय यंत्रणा अस्तित्वांत हाडटले.

अ. 2023 वर्सा मेरेन राज्य शासन लोकसंख्येचें प्रमाण, संधानता (कनॅक्टिव्हिटी) आनी हेर स्थानीक मुद्द्यांचो विचार करून **शाळांनी विविध शालेय संकुलांनी गटबद्ध** करतले. गटबद्ध करपाच्या ह्या उपक्रमांत सध्याच्या शाळांच्या अवस्थांचें पुनर्विलोकन करून ज्या शाळांनी विद्यार्थ्यांची पटसंख्या सामकी कमी वा अणी आसा (देखीक. <20 विद्यार्थी) अशा शाळांचें विलीनीकरण करतले. पूण अशें करतना, भुरग्यांक शाळेंत यो-वचकरतना कसल्याच प्रकाराची गैरसोय जावची न्हय म्हूण दळणवळणाची आवश्यक सुविधा पुरवण करतले. ह्या माध्यमांतल्यान राज्य शासनाक सध्याच्या शाळांचे अवस्थेची छाननी करपाचीय संद मेळटली.

आ. शालेय संकुलांनी मुख्य प्रवाहा पासून थोडेश्या वेगळेल्हान शाळांचो अलगपणा ना जातलें आनी शिक्षणीक दृश्टी वा प्रशासकीय दृश्टीएकठांय काम करपा खातीर वा एकमेकांक सहाय्य करपा खातीर **शिक्षकांचो** आनी **प्राचार्यांची एक विशाल समुदाय निर्माण** जातली. शासकीय शालेय प्रणाली खातीर शालेय संकूल हें प्राथमीक प्रशासकीय युनिट आसतलो.

इ. एखादो विशिश्ट शालेय संकूल म्हणजे एकमेकां कडेन जोडिल्लो वा एकसंघ आशिल्ल्या प्रदेशांतली 10-20 सरकारी शाळांचो समूह वा चोंबो आसतलो. त्या ठिकाणी शिक्षणाच्या पायाभूत स्तरा पासून ते बारावी येत्ते मेरेनचें शिक्षण प्रदान करतले. माध्यमीक शाळेचे प्राचार्य ह्या शालेय संकुलाचे मुखेली वा प्रमुख आसतले.

ई. एखादो विशिश्ट शालेय संकूल म्हणजे एक असो **निम-स्वायत्त (सेमी ऑटोनॉमस) युनिट** आसतलो, जातूंत शिक्षणाच्या पायाभूत स्तरा पासून ते बारावी येत्ते मेरेनचें शिक्षण प्रदान करतले. हातूंत एक

माध्यमीक शाळा (सॅकंडरी स्कूल) आसतलें (णवी ते बारावी येत्ता मेरेन) आनी ताचे भोंवतणी सगळयो सरकारी शाळा मूलभूत/ प्राथमीक आनी माध्यमीक शालेय शिक्षण प्रदान करतल्यो.

उ. शाळांनी शालेय संकुलांनी गटबद्ध केल्ल्यान विशयांचे शिक्षक, खेळ, संगीत आनी कला शिक्षक, समुपदेशक आनी समाज-सेवक हांचे सयत सगळयो **साधन-सुविधा शाळांनी एकमेकां** वांगडा **गरजे** प्रमाणें वांटून घेवप शक्य आसतलें. त्या शिवाय ह्या एकीकरणाक लागून प्रयोगशाळा, ग्रंथालयां, आय.सी.टी. उपकरणां, संगीत वाद्यां, खेळां उपकरणां आनी साहित्य, खेळा-मैदान, आनी हेर भौतीक साधन-सामुग्रीची एकमेकां-वांगडा नियोजनबद्ध पद्धतीन वांटून घेवप शक्य आसतलें. हाचो परिणाम म्हणल्यार, सार्वजनीक साधन-सुविधांचो इष्टतम विनियोग जातलो.

ऊ. प्रारंभीक तीन वर्सांचें पायाभूत/मुळावें शिक्षण दिवपी शाळा, वेवसायीक शिक्षण आनी प्रौढ शिक्षण दिवपी संस्था, शिक्षक सहाय्य संस्था वा एकमेकां कडेन भुगोलीक दृश्टीन लागीं आशिल्ली वा जोडिल्ल्या परिसरांतल्या दिव्यांग भुरग्यांक सहाय्य दिवपा वांगडाच सगळयांक एकमेकांच्या कामांत सहाय्य करपा खातीर सगळया प्रकाराच्या शिक्षणीक **सुविधांचो संलग्न संच** तयार करप, हो शालेय संकूल निर्मिती फाटलो म्हत्वपूर्ण उद्देश आसा. जिल्ल्यांतल्या उच्च शिक्षण संस्थाय हे विशीं सगळयांक सहाय्य दितली. (देखीक. शिक्षक वेवसायीक विकासांत सहाय्य करप).

ऋ. प्रत्येक संकुला खातीर सगळया समावेशक **शिक्षक विकास आराखडो** आंखतले आनी सहयोगी अध्ययन समुदाय जाणीवपूर्वक विकसीत करतले आनी सप्तकी बसका, शिक्षक अध्ययन केंद्रां अशे प्रक्रियेंतल्यान ताका शाश्वत दवरतले. त्याच वांगडा परिसंवाद (सेमिनार्स), वर्गांतले देखरेखींतल्यान मार्गदर्शन (इन क्लास मॅण्टॉरिंग), अणभव भेटी, आनी हेरांतल्यान सातत्यान वेवसायीक विकास घडोवन हाडटले. जिल्लो शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्था आनी ब्लॉक वा क्लस्टर रिसोर्स सँटर्सा वरवीं शिक्षणीक आनी शिक्षक सहाय्य प्रणालीय शालेय संकूल प्रणाली कडेन सुसंगत करतले.

ऌ. दरेकी शालेय संकुलांत एक **शालेय संकूल वेवस्थापन समिती** आसतली जातूंत संकुलांतली सगळया शाळांचें आनी त्याच वांगडा प्रौढ शिक्षण केंद्र, गट साधन केंद्र (क्लस्टर रिसोर्स सँटर) आनी हेरांचो संकुला कडेन संलग्न आसपी हेर संस्थांचे प्रतिनिधीय आसतले. शाळेचे वतीने राज्य सरकार आनी तांचे समितींक तांच्या कामकाजांत हस्तक्षेप करपाचो अधिकार ह्या समितींक आसतलो. वयली समिती शिक्षकांचे कामगिरीचें मूल्यमापनांतूय मोलाची वा मध्यवर्ती भुमिका करतली.

ऍ. सुरवेक दरेकी शाळा स्वताचो विकास आराखडो तयार करतली. ताचे वयल्यान **शालेय संकुलाचो विकास आराखडो** आंखतले आनी तत्पश्चात, ताका शालेय शिक्षण विभागा कडल्यान अनुमोदन दितले.

शालेय प्रणालीचे देखरेखी खातीर आनी तांचें कार्य सुरळीत जावन तांचें सबली करपा खातीर दरेकी जिल्ल्यांत **डिस्ट्रिक्ट ऍज्युकेशन** कौंसील/ **जिल्लो शिक्षण परिशद** स्थापन करतले.

## 7. शालेय शिक्षणाचें विनियमन

**उद्देश:** शालेय शिक्षणांत सचोटी आनी पारदर्शकता आसची, आनी शिक्षणीक निश्पतींत निरंतर सुदारणां जावचीं ह्या हेतून शिक्षण प्रणालीचे गुणवत्तेक वा अभिनव उपक्रमांक चालना दिवपा खातीर प्रभावी विनियमन आनी प्रमाणन (ऍक्रेडीटेशन) यंत्रणा तयार करून, भारतीय शालेय शिक्षण प्रणालींत नवचैतन्य हाडप.

विनियमन शिक्षणीक सुदारणेचें साधन तयार जावंक जाय आनी ताका लागून भारतीय शाळेंत शिक्षण प्रणालींत उर्जितावस्था येवंक जाय.

अ. संघर्श स्वारस्य टाळचो ह्या हेतून, शाळांचें विनियमन आनी प्रचालन (ऑपरेशन्स) स्वतंत्र समिती कडल्यान करतले. **धोरण-निश्चिती, विनियमन, प्रचालन** आनी शिक्षणीक गजाली **सुस्पष्ट, स्वतंत्र प्रणाली** अस्तित्वांत आसतली.

आ. दरेकी राज्या खातीर **राज्य शालेय नियंत्रण प्राधिकरण (स्टेट स्कूल रेग्युलेटरी ऑथॉरिटी)** नांवाची अर्द अर्ध न्यायीक अधिकार स्वरुपाची स्वतंत्र राज्यव्यापी नियंत्रण समिती निर्माण करतले, जाल्यार संपूर्ण राज्यांतली सरकारी शालेय प्रणालीचें प्रचालन शालेय शिक्षण संचालनालया कडल्यान सांबाळटले.

इ. वयलो **विनियमन** शालेय गुणवत्ता मूल्यमापन आनी मान्यता आराखडो (स्कूल क्वॉलिटी ऍसेसमँट अँड ऍक्रेडीटेशन फ्रेमवर्क) हाका अनुसरून आशिल्ले **मान्यता प्रणालीचेर आदारीत** आसतली. वयलो आराखडोफकत मूलभूत निकशां विशीं उपाय-योजना करतलो आनी शाळा सुरू करपाची अनुज्ञप्ती कळयतलो. शाळा स्वमान्यता घेतली आनी लेखा परिक्षा करपा खातीर यंत्रणा उबारतले. वयली प्रक्रिया सरकारी वा खासगीअश्या दोनूयस्वरुपाच्या शाळांक लागू जातली.

ई. विनियमनाची अंमलबजावणी सद्याच्या निरीक्षण दृश्टीकोनांतल्यान (इंस्पेक्टोरियल ऍप्रोच) करचे नात. ते खातीर शाळां संबंदीत सगळी पुराय माहिती सार्वजनीक क्षेत्रांत उपलब्ध आशिल्ल्यान, विद्यार्थ्यांचे **पालकूच वस्तुतः** ह्या **विनियमनाचे नियंत्रक** आसतले.

उ. राज्यांतल्या शाळां खातीर आवश्यक आशिल्ली मानकांची रचना आनी अभ्यासक्रम हाचे सयत सगळयो शिक्षणीक गजाली ‘राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद’ हांचे कडल्यान कार्यान्वित जातली. शालेय स्तराचेर (शाळा सोडी मेरेन) घेवपी क्षमता परिक्षांच्या प्रमाणपत्रां खातीरच्यो गजाली प्रमाणपत्र/परिक्षा मंडळां कडल्यान हाताळटले आनी ते हे संबंदी आवश्यक अर्थपूर्ण परिक्षाय घेतले. पूण, (पाठ्य-पुस्तकां सयत) अभ्यासक्रम थारावपांत तांची कसलीच भुमिका आसची ना.

ऊ. **खासगी** फुडाकार घेतिल्ले **(परोपकारी) भावनें**तल्यान चलयतात त्या शाळांच्या सत्कार्याला प्रोत्साहन दितले आनी तांचे विशीं विनियमनाचो भार कमी करतले. तशेच वेवसायीक स्वरुपात आर्थिक लाव मेळोवपाच्या उद्देशान शाळा चलोवपी खासगी शाळाचालकांक मज्जाव करतले.

ऋ. **शासकीय** आनी **खासगी शाळांचो एकसमान निकश, मापदंड** आनी **प्रक्रियेच्या** आदारान **विनियमन** करतले. ताचे वांगडा भौसाच्या हितान खासगी शाळांक आनी खासगी फुडाकार घेतिल्ल्या (परोपकारी) उपक्रमांक प्रोत्साहन दितले.

ऌ. राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद दरेकी राज्या खातीर **शालेय गुणवत्ता मूल्यमापन** आनी **मान्यता आराखडो** विकसीत करतली. राज्य शालेय नियंत्रण प्राधिकरण (स्टेट स्कूल रेग्युलेटरी ऑथॉरिटी) मान्यतेचे प्रणालीचेर आदारीत विनियमन करपा खातीर वयल्या आराखड्याचो वापर करतलें.

एॅ. शाळा आनी शालेय संस्थांक अभ्यासक्रम निवडपाची लवचिकता आनी स्वातंत्र्य आसतलें. पूण, निवड केल्लो अभ्यासक्रम राष्ट्रीय/ राज्य पांवड्यार अभ्यासक्रम आराखड्या कडेन सुसंगत आसूंक जाय.

ऎ. सगळयो समिती वा  संस्था वर्साचे क तसेच मध्यकालीन (3-5 वर्सां) मुदतीचे आराखडे तयार करतले. संबंदीत उच्च नियामक मंडळा कडल्यान रीतसर पुनर्विलोकन प्रक्रिया निर्माण करतले.

ए. राष्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशदे कडल्यान नमुनो तत्वांचेर विद्यार्थ्यांच्या अध्ययन स्तराचें **'राष्ट्रीय संपादणूक सर्वेक्षण' (नॅशनल अचिव्हमेंट सर्व्हे)** करपाची प्रक्रिया तशीच चालू उरतली. राज्य सरकार लेगीत जनगणनेचेर आदारीत 'राज्य संपादणूक सर्वेक्षण' (स्टेट अचिव्हमेंट सर्व्हे) करूंक शकता.

ऐ. **'शिक्षणाचो अधिकार'** शालेय विनियमन आनी अनुपालन हांचे दृश्टीन सामको म्हत्वाचो वैधानीक घटक आशिल्ल्यान, ताचें **पुनर्विलोकन** करतले आनी वयलें धोरण सक्षम करपा खातीर आनी तो अधिनियम अस्तित्वांत आयल्या उपरांत, ताचे कडल्यान मेळिल्ले शिकवणीचेर आदारीत नियोजीत सुदारणां अंमलांत हाडपा खातीर **अधिनियमांत योग्य** सुदारणां करतले.

# उच्च शिक्षण

1. **नवी संस्थात्मक पायाभूत सुविधा (आर्किटेक्चर)**

**उद्देश:** उच्च शिक्षण प्रणालींत परिणामकारी बदल करप, देश भरांत संवसारीक दर्जाच्यो शिक्षणीक संस्था निर्माण करप – 2035 वर्सा मेरेन ग्रॉस एनरोलमेंट रेशो किमान 50% मेरेन वाडोवप.

विशाल, सगळयो साधनसमृद्ध, चैतन्यमय बहुविध फांट्यांनी सुसज्ज संस्थांचे मार्फत उच्च शिक्षणा खातीर नवी दूरदृश्टी आनी संरचना (आर्किटेक्चर) परिकल्पीत केल्या. सध्या अस्तित्वांत आशिल्लीं 800 विद्यापिठां आनी 40,000 महाविद्यालयां आनी सुमार 15,000 उत्कृश्ट संस्था संकलीत करतले.

अ. नवी उच्च शिक्षण पायाभूत सुविधा (आर्किटेक्चर) अध्यापन आनी संशोधना खातीर **विशाल,** सगळयो **साधनसमृद्ध, चैतन्यमय बहुविध** फांट्यांनी **सुसज्ज** आशिल्ल्या **स्वायत्त संस्थांची** उबारणी करतले. हाका लागून उच्च शिक्षण देशांत सगळयां मेरेन पावतलें आनी  शिक्षणीक संस्थांची क्षमता वाडटली आनी त्याच वांगडा सबळ शिक्षणीक समुदायांची निर्मिती जातली. विविध विशय आनी क्षेत्रां संबंदीत अभ्यासक्रम उपलब्ध आशिल्ल्या ह्यो उच्च शिक्षण संस्था बहुविध फांट्यांनी सुसज्ज आसतल्यो.

आ. विशिश्ट उद्देशा प्रमाणें निर्माण करपी उच्च दर्जाच्यो **तीन प्रकाराच्यो संस्था** अस्तित्वांत येतल्यो:

- प्रकार 1 – हातूंत संवसारीक दर्जाचें संशोधन आनी सगळया फांट्यां खातीर उच्च दर्जाचें अध्यापन करतले.
- प्रकार  2 – हातूंत सगळया फांट्यां खातीर उच्च दर्जाचें अध्यापन करपा वांगडाच  संशोधनांतूय म्हत्वपूर्ण  योगदान दितले.
- प्रकार 3 – हातूंत सगळया फांट्यां खातीर उच्च दर्जाचें अध्यापन करतना पदवीपूर्व (अंडर-ग्रॅज्युएट) शिक्षणाचेर लक्ष केंद्रीत करतले.

इ. सद्याच्या संस्थांचें एकीकरण आनी पुनर्रचना करून आनी वांगडा कांय नव्यो  संस्था निर्माण करून सदरील पुनर्रचना सामकी पद्धतशीरपणान आनी काळजीपूर्वक करतले. नवी संस्थात्मक शिक्षण पायाभूत सुविधेच्या (आर्किटेक्चराच्या) उत्प्रेरणा खातीर **'नालंदा अभियान' (मिशन नालंदा)** आनी **'तक्षशिला अभियान' (मिशन तक्षशिला)** सुरू करतले. ह्याच अभियानाचो भाग म्हणून कार्यास गतिशीलता हाडपी कांय  संस्था, इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ लिबरल आर्टस्/बहुशाखीय शिक्षण आनी संशोधन विद्यापिठांचीय उबारणी करूंक शकतात.

ई. सगळयो संस्था **विद्यापिठां** आसतलीं वा  **पदवी प्रदान करपी स्वायत्त महाविद्यालयां** आसतलीं.

उ. सार्वजनीक क्षेत्रांतलो उच्च शिक्षणाचो विस्तार आनी पुनरुज्जीवन जावपी नदरेन अतिशय रास्त आनी पारदर्शक प्रणाली वरवीं **सार्वजनीक क्षेत्रांतल्यान मोठी गुंतवणूक** करतले.

ऊ. **दुर्लक्षीत वा वंचित** भुगोलीक **क्षेत्रांनी** उच्च दर्जाच्या संस्थांची उबारणी प्राधान्यक्रमी आसतली.

ऋ. ही नवी संस्थात्मक पायाभूत सुविधा (आर्किटेक्चर) वेवसायीक क्षेत्रां सयत सगळया क्षेत्रांक आसपावून घेतली.

## 1. उच्च दर्जाचें उदारमतवादी शिक्षण

**उद्देश:** उच्च शिक्षणा खातीर निवड केल्ल्या फांट्यांत, विशयांत वा क्षेत्रांत खोल विशेश ज्ञान आत्मसात करून विद्यार्थ्यांच्या सर्वांगीण विकासाचो पाया रचपाच्या उद्देशान चड कल्पक वा विस्तृत स्वरुपाच्या उदारमतवादी शिक्षणा कडेन वाटचाल करप.

सगळया पदवीपूर्व (अंडर-ग्रॅज्युएट) अभ्यासक्रमांत उदारमतवादी शिक्षणाचो दृश्टीकोन एक प्रमुख वैशिश्ठय आसतलें. विद्यार्थ्यांच्या सर्वांगीण विकासाचो पाया रचपाच्या उद्देशान चड कल्पक वा लवचिक अभ्यासक्रम, अभ्यासाच्या विविध फांट्यांचें वा विशयांचें कल्पक मिश्रण वा एकीकरण केल्ल्या कार्यक्रमांत अनेक आगमन आनी बहिर्गमन मार्गांचो (एंट्री आनी ऍक्झिट पॉईंट्स) आसपाव आसतलो.

अ. घटनात्मक मुल्यां विकसीत करपाच्या हेतून विस्तृत बहुशाखीय अणभव आनी संदी दिवपी **उदारमतवादी शिक्षण** उच्च शिक्षणाचो पाया आसतलो. हातूंतल्यानूच विद्यार्थ्यां मदीं म्हत्वाची जीवन क्षमता, विशयांची खोल जाण आनी समाजा कडेन नैतीक बांधिलकीचो भाव विकसीत जातलो. पदवीपूर्व (अंडर-ग्रॅज्युएट) पांवड्यार पेशाविशयक आनी वेवसायीक क्षेत्रां सयत सगळया प्रकाराच्या फांट्यां खातीर, कार्यक्रमां खातीर आनी क्षेत्रां खातीर होच दृश्टीकोन आसतलो.

आ. केंद्र शासन 'इंडियन इन्स्टिट्यूट्स ऑफ टेक्नॉलॉजी'च्या (आयआयटी) धर्तरेचेर धा 'इंडियन इन्स्टिट्यूट्स ऑफ लिबरल आर्टस्'/'बहुशाखीय शिक्षणीक आनी संशोधन विद्यापिठांची उबारणी करतले.

इ. **अभ्यासक्रमाच्या कल्पक** आनी **लवचिक रचने**क लागून अभ्यासाच्या विविध फांट्यांचें वा विशयांचें कल्पक मिश्रण निर्माण करप शक्य जातलें आनी विद्यार्थ्यांक अनेक उपयुक्त आगमन आनी बहिर्गमन मार्ग (एंट्री आनी ऍक्झिट पॉईंट्स) प्राप्त जातले. ताका लागून सध्या अस्तित्वांत आशिल्ली एकसुरी, चाकोरीबद्ध अभ्यासक्रमांची पद्धत मोडून काडूंक मेळटली आनी आजीवन शिकपाची शक्यता निर्माण करूंक जातली. पदवी (मास्टर्स आनी डॉक्टरेट) पांवड्यार शिक्षण खोल संशोधनाचेर आदारीत विशेशज्ञता (स्पेशलायझेशन) उपलब्ध करून दितले.

ई. पदवीपूर्व (अंडर-ग्रॅज्युएट) पदवीचा कालावधी 3 ते 4 वर्सांचो आसूंक शकता. हे मजगतीं कालावधींत संस्था विद्यार्थ्यांक योग्य प्रमाणपत्र प्रदान करून **अनेक बहिर्गमन मार्ग (ऍक्झिट पॉईंट्स)** आनी संदी उपलब्ध करून दिवंक शकतात. (पेशा-विशयक आनी वेवसायीक क्षेत्रां सयत) खंयच्याच फांट्याचोवा क्षेत्रांचो 2 वर्सांचो अभ्यासक्रम पूर्ण केल्या उपरांत 'प्रगत पदविका' (ऍडव्हान्स्ड डिप्लोमा) वा 1 वर्स अभ्यासक्रम यशस्वी रितीन पूर्ण केल्या उपरांत प्रमाणपत्र प्रदान करूंक शकतात.

उ. 4 वर्सांचो अभ्यासक्रम विद्यार्थ्यांक उदारमतवादी शिक्षणाचो चौफेर आनी खोल अभ्यास करपाची भांगराळी संद दितलो. प्रमुख वा दुय्यम विशय निवडी प्रमाणें (मेजर आनी मायनर) ह्या अभ्यासक्रमाक **'बॅचलर ऑफ लिबरल आर्टस्'** अशेंसंबोधन करतले. 3 वर्सांचो अभ्यासक्रम पूर्ण केल्या उपरांत 'बॅचलर' पदवी मेळटली. विद्यार्थ्यान जरी संबंदीत विशयांत संशोधन कार्य केल्लें आसल्यार, ताका दोनूय अभ्यासक्रमांनी 'ऑनर्स' पदवी मेळूंक शकता.

ऊ. कांय विशिश्ट वेवसायीक फांट्यांनी (देखीक. शिक्षक शिक्षण, अभियांत्रिकी, वैजकीयशास्त्र, विधी) पदवीपूर्व (अंडर-ग्रॅज्युएट) पदवी अभ्यासक्रमांत फकत 4 वर्सांचो (वा ताचे परस चड कालावधीचो) अभ्यासक्रम उपलब्ध आसूंक शकता.

ऋ. संस्थांक पदव्युत्तर (मास्टर्स) अभ्यासक्रमाचे रचनेंत विविध पर्याय प्रदान करपाची सूट आसतली. देखीक. कांय बाबतींत 2 वर्सांचो अभ्यासक्रम आसतलो, जातूंत दुसरें वर्स पूर्णत: संशोधनाक अर्पीत केल्लें आसतलें , जांणी 3 वर्सांची पदविका (अंडर-ग्रॅज्युएट) अभ्यासक्रम पूर्ण केल्लो आसल्यार, 5 वर्सांचो एकीकरण केल्लो पदव्युत्तर (मास्टर्स) अभ्यासक्रम आसूंक शकता, आनी 4 वर्सांची पदविका (अंडर-ग्रॅज्युएट) अभ्यासक्रम 'ऑनर्स' सयत पूर्ण केल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर फकत 1 वर्साचोच पदव्युत्तर (मास्टर्स) अभ्यासक्रमूय उपलब्ध आसतलो.

ऌ. पीएच.डी. करूंक प्रवेश घेवपा खातीर पदव्युत्तर (मास्टर्स) पदवी वा 4 वर्सांची पदविका (अंडर-ग्रॅज्युएट) अभ्यासक्रम 'ऑनर्स' सयत पूर्ण केल्लो आसप भोव गरजेचो आसा, तसोच एम्. फिल. हो अभ्यासक्रम बंद करतले.

## १. अध्ययनाक पोशक वातावरण निर्माण करप

**उद्देश:** अभ्यासक्रम आनंददायी, खोल आनी परस्परसंवादी आसतलो, अध्यापनशास्त्र विद्यार्थ्यांक विशया कडेन बांदून दवरपी वा प्रभावी आसतलो आनी विद्यार्थ्यांक अध्ययन क्रियेंतल्यान चडांत चड निश्पत्ती जावची वा तांचो सर्वांगीण विकास जावचो ह्या खातीर तांची काळजी घेवपी मदतशीर वातावरण आसा, हाची दक्षता घेवप.

उच्च शिक्षणांतलो अभ्यासक्रम आनी अध्यापनशास्त्र पारंपरीक पाठ करपाचे आदारीत यांत्रीक प्रक्रिये प्रमाणें शिक्षण दिवपी आसचे नात. ताका लागून तरणाट्यांक लोकशाहीतील जागृक नागरीक वा खंयच्या क्षेत्रांतली यशस्वी वेवसायीक अशे दुसरे भुमिकेंतल्यान समाजा खातीर योगदान दितले.

अ. **'राष्ट्रीय उच्च शिक्षण पात्रताय आराखडो'** (**'नॅशनल हायर एॅज्युकेशन क्वॉलिफिकेशन्स फ्रेमवर्क'**) अतिशय चैतन्यमय आनी खोल अभ्यासक्रम विकसीत करतली. तातूंत विविध क्षेत्रांत वा विशयांत प्रदान करूंक येवपी पदवी/पदविका/प्रमाणपत्रां हांचे संबंदीत अध्ययन निश्पत्ती साकारूंक येतली. शिक्षणीक, वेवसायीक आनी पेशा-विशयक क्षेत्रांनी समानता आनी गतिशीलता हाडपा खातीर वयलो आराखडो 'राष्ट्रीय कौशल्य पात्रताय आराखड्या' कडेन ('नॅशनल स्किल्स क्वॉलिफिकेशन्स फ्रेमवर्क') संलग्न करतले.

आ. **पसंती** प्रमाणें **क्रेडिट** प्रणालींत (**चॉईस बेस्ड क्रेडिट सिस्टिम**) बदल करतले आनी तातूंत लवचिकता आनी नाविन्य येवपा खातीर आवश्यक सुदारणां करतले.

इ. प्रभावी अध्यापन शास्त्रीय पद्धतींत उत्तेजनावर्धक अध्ययन अणभव प्रदान करतले; तशेच सगळ्या विद्यार्थ्यांनी लेगीत सामाजीक प्रतिबद्धतेच्या अर्थपूर्ण संदी प्रदान करतले. विद्यार्थ्यांचें मूल्यमापन फकत शिक्षणीक निकशांचेरूच न्हय तर तांची व्यापक क्षमता आनी स्वभाव गुणधर्मूंय पळयतले.

ई. शिक्षणाची फलश्रुती चड सरस जावची म्हणून विद्यार्थ्यां खातीर शिक्षणीक, आर्थिक आनी भावनीक सहाय्य सदांच उपलब्ध आसतलो.

उ. उक्तें **शिक्षण** वा **दूरस्थ शिक्षणाच्या** (**डिस्टन्स लर्निंग**) कक्षा रूंद करतले. ही गजाल ग्रॉस एॅनरोलमँट रेशो 50% मेरेन वाडोवपा खातीर मोलाची भुमिका निबयतले. ऑनलायन अंकीय संग्रह (ऑनलायन डिजिटल रिपॉझिटरी), संशोधना खातीर अर्थ सहाय्य, सुदारीत विद्यार्थी सेवा, एमओओसीक गुणांकना प्रमाणें दितात ती मान्यता, आनी हेर उपाय-योजना करून अशा प्रकाराचें शिक्षण वर्गांतर्गत शिकयतात त्या सर्वोच्च दर्जाचे शिक्षण पद्धतींचे बरोबरींत आसतलें, हाची दक्षता घेतले.

ऊ. संस्थात्मक सहकार्य आनी विद्यार्थी आनी अध्यापक हांचे भितर गतिशीलता वरवीं शिक्षणाचे **आंतरराष्ट्रीयीकरण** सादतले. निवड केल्लीं भारतीय विद्यापिठांनी आंतरराष्ट्रीय शिक्षणा खातीर आंतर-विद्यापीठ केंद्राची स्थापना करतले.

## 2. उत्साही, सहभागी जावपी आनी सक्षम अध्यापक

**उद्देश:** उच्च सक्षमता वा दृढ बांधिलकी आशिल्ले आनी अध्यापन वा संशोधनांत सर्वोत्कृश्टता प्राप्त करपा खातीर उत्साही आशिल्ले सबळ अध्यापक वर्ग निर्माण करप

उच्च शिक्षण संस्थांच्या येसांत, सगळयांत म्हत्वाचो आनी  निर्णायक पैलू म्हणजे अध्यापकांचो दर्जा आनी सहभाग/वांटो. वयलें  धोरण अध्यापकांक परतून एकदां उच्च शिक्षणाच्या केंद्रस्थानी स्थानापन्न करता.

अ. दरेकी संस्थे कडेन फावोशें अध्यापक वर्ग आसतलें. ताचे मार्फत सगळे कार्यक्रम, अभ्यासक्रम, विशय आनी क्षेत्राच्यो गरजो पूर्ण करतात, अपेक्षीतत विद्यार्थी-शिक्षक गुणोत्तर (30:1) राखतले आनी अध्यापक वर्गांत वैविध्य राखतले.

आ. आयज मेरेन वरांच्या तत्वांचेर, अभ्यागत वा कंत्राट पद्धतीन करतात ती  अध्यापकांची नियुक्ती ताबडतोब बंद करतले.

इ. अध्यापकांची भरती ताचें शिक्षणीक नैपुण्य, अध्यापनाची तांक/क्षमता आनी सार्वजनीक क्षेत्रांत समाज सेवे खातीर आशिल्ल्या तांच्या कल हाचेर आदारीत आसतलो.

ई. योग्य पद्धतीन साकारलेली कायमस्वरुपी रोजगार (कालावधी) अनुचिन्न प्रणाली (पर्मनंट ऍम्प्लॉयमँट (टेनॉर) ट्रॅक सिस्टिम) अंमलात हाडटले. 2030 वर्सा मेरेन वयली प्रणाली खासगी संस्थां सयत देशांतल्या सगळ्या संस्थांक पूर्णतः कार्यान्वित करतले.

उ. अध्यापकांक तांच्या कोर्सा खातीर अभ्यासक्रमाचे पर्याय निवडपा खातीर आनी शिक्षणीक स्वातंत्र्या प्रमाणें संशोधन करपा खातीर सक्षम करतले.

ऊ. सगळ्या संस्था अध्यापकां खातीर निरंतरी वेवसायीक विकास आराखडो विकसीत करतले आनी त्या आराखड्याचे अंमलबजावणीची प्रक्रिया थारायतले. वयल्या आराखड्यांत क्षेत्र/विशयांत क्षमता विकास, अध्यापन शास्त्रीय क्षमता, संशोधन आनी पद्धतींत योगदानाचो आसपाव आसतलो.

ऋ. अध्यापक भरती आनी विकास, कारकीर्द श्रेणी-बदल, मानधन वेवस्थापन ह्यो गजाली  प्रत्येक संस्थेच्या संस्थात्मक विकास आराखड्याचो भाग आसतलो.

### 3. सबळ अनुपालन आनी स्वायत्तता

**उद्देश:** सक्षम आनी नैतीक मूल्यादिश्टीत नेतृत्वान प्रणीत स्वतंत्र, स्वयंशासीत उच्च शिक्षण संस्था निर्माण करप

उच्च दर्जाच्या शिक्षणा खातीर आनी संशोधना खातीर पोशक सुसंस्कृत वातावरणांत बौद्धिक क्षोभ जावप आवश्यक आसता - हें सुसंस्कृत वातावरण उच्च शिक्षण प्रदान करपी संस्थांचें अनुशासन थारायता.

अ. उच्च शिक्षण संस्थांचें अनुशासन संपूर्ण शिक्षणीक आनी प्रशासकीय स्वायत्तता आशिल्ल्या **स्वतंत्र मंडळां** कडल्यान करतले. वयलें मंडळ, ताचो अध्यक्ष आनी कुलगुरू / संचालक (प्रमुख कार्यकारी अधिकारी) हांची निर्मिती आनी नियुक्ती अनुशासनांत शासना सयत हेर कोणाचीच जावंक शकना कसल्याच प्रकाराची  संभाव्य बाह्य हस्तक्षेप टाळपा खातीर उपयुक्त थारतलें, आनी ताका लागून संस्थे कडेन पराकोटीची वचनबद्धता आशिल्ल्या उच्च क्षमतेच्या लोकांची संस्थे कडेन आशिल्ली बांधिलकी वृद्धिंगत करतले.

आ. सगळ्यो उच्च शिक्षण संस्था **स्वायत्त स्वयंशासीत संस्था** आसतल्यो आनी 'मान्यताय' (ऍफिलिएशन) प्रदान करपाची पद्धत बंद करतले. 'मान्यताय प्राप्त महाविद्यालयां'ना स्वायत्त पदवी प्रदान करपी महाविद्यालयां ह्या अर्थी विकसीत करपा खातीर आवश्यक सहाय्य करतले आनी 'मान्यताय प्राप्त विद्यापिठां' चैतन्यमय बहुशाखीय संस्थांनी विकसीत करतले.

इ. विनियमन निकशां प्रमाणें खासगी आनी **सरकारी संस्थांक एकसमान मान**तले. शिक्षणाचें वेपारीकरण थांबयतले आनी  फुडाकार घेतिल्ले (परोपकारी) वृत्तीन शिक्षण प्रसार करूंक प्रयेत्नशील आशिल्ल्या व्यक्तींक वा संस्थांक उत्तेजन दितले.

ई. शिक्षण प्रणाली – तिची संस्कृती, रचना आनी यंत्रणा – हातूंत **स्वायत्तता खो**लायेन **रुज**यतले. अध्यापकांक अध्यापन शास्त्राचो दृश्टिकोन, विद्यार्थी मूल्यमापन आनी संशोधना सयत हेर शिक्षणीक गजालींनी स्वातंत्र्य दितले आनी अभ्यासक्रमा विशीं सबलीकरण करतले. संस्थांक शिक्षणीक आनी प्रशासकीय स्वायत्तता आसतली. हातूंत नवे कार्यक्रम, उपक्रम सुरू करतलेआनी राबयतले, अभ्यासक्रम थारावप, विद्यार्थी प्रवेश संख्या थारावप, साधनांच्यो गरजो थारावप, आनी अनुशासन वा व्यक्ती वेवस्थापन प्रणाली सयत  स्वतःच्या अंतर्गत प्रणाली विकसीत करपाचो आसपाव आसतलो. उच्च शिक्षण संस्था खऱ्या अर्थान स्वायत्त, स्वतंत्र आनी स्वयंशासीत संस्थांक विकसीत करतले.

## 4. विनियमनाचे प्रणालींत परिणामकारी बदल

**उद्देश:** उच्च शिक्षणांत सर्वोत्तम कामगिरी आनी सामुदायीक उत्साहवर्धन जावंक चालना मेळची ह्या उद्देशान प्रभावी, सक्षम करपीआनी परस्परसंवादी विनियमन अस्तित्वांत हाडप

अ. **प्रमाणन, अर्थसहाय्य, मान्यताय प्राप्ती** आनी **विनियमन** हीं कार्यां वेगवेगळी करतले आनी वयलीं कार्यां **स्वतंत्र मंडळां** कडल्यान करतले. हाका लागून सत्तेचें केंद्रीकरण आनी स्वारस्य संघर्श टाळूंक मेळटले.

आ. वेवसायीक शिक्षणा सयत सगळया प्रकाराच्या उच्च शिक्षणा खातीर फकत **राष्ट्रीय उच्च शिक्षण नियंत्रण प्राधिकरण (नॅशनल हायर एॅज्युकेशन रेग्युलेटरी ऑथॉरिटी)** ही एकूच नियंत्रण यंत्रणा आसतली. सगळया सद्याच्या नियंत्रण मंडळांचें रुपांतर वेवसायीक प्रमाणन मंडळांनी (प्रॉफेशनल स्टँडर्ड सॅटिंग बॉडीज) करतले.

इ. सद्याचें विद्यापीठ अनुदान आयोगाचें (युनिव्हर्सिटी ग्राण्ट कमिशन) रुपांतर उच्च शिक्षण अनुदान परिशदेंत (हायर एॅज्युकेशन ग्राण्ट कौंसील) करतले.

ई. 'सामान्य शिक्षण परिशदे'ची स्थापना करतले आनी उच्च शिक्षणाचे 'पदवी गुणधर्म' म्हणजेच 'अपेक्षीत अध्ययन निश्पत्ती' परिभाशीत करपा खातीर हे परिशदे कडल्यान 'राष्ट्रीय उच्च शिक्षण पात्रताय आराखडो' ('नॅशनल हायर एॅज्युकेशन क्वॉलिफिकेशन्स फ्रेमवर्क') विकसीत करतले.

उ. **मूलभूत निकशां**चेर आदारीत **मान्यताय विनियमना** खातीर **आदार भूत** आसतलें. 'राष्ट्रीय मूल्यमापन आनी मान्यताय परिशद' (नॅशनल एॅसॅसमँट अँड एॅक्रेडीटेशन कौंसील) मान्यताय प्रदान करपी संस्थांची संपूर्ण सांखळी विकसीत करतले आनी पूर्ण प्रक्रियेची देखरेख करतले.

ऊ. सरकारी आनी खासगी **उच्च शिक्षण संस्थां** खातीर **एकूच सामायीक नियंत्रण पद्धती** आसतली.. खासगी **क्षेत्रां**तल्यान फुडाकार घेतिल्ले **(परोपकारी) वृत्तीन** फुडाकार घेवपी संस्थांक प्रोत्साहीत करतले.

ऋ. नियंत्रण प्रणालींत राज्य सरकाराच्या उच्च शिक्षण विभागाच्या धोरण स्तराचेर आसपाव आसतलो. राज्य उच्च शिक्षण परिशद वयली नियंत्रण प्रणाली आवश्यक सहाय्य पुरवण करतले आनी स्वतःकडील सर्वोत्तम कार्यपद्धतींची देवण-घेवण करतले.

# शिक्षक शिक्षण

## १. शिक्षकांची पूर्व-तयारी

**उद्देश:** शिक्षक शिक्षण प्रणाली मदीं परिणामकारी बदल करून बहुशाखीय महाविद्यालयां मदीं आनी विद्यापिठां मदीं शिक्षक शिक्षण प्रणाली राबोवन आनी सगळया शालेय शिक्षकां खातीर चार वर्सांचो एकीकृत केल्लो बॅचलर पदवी अभ्यासक्रम अस्तित्वांत हाडून शिक्षकांक साहित्य, अध्यापन शास्त्र आनी सराव हाचे मदीं सर्वोच्च दर्जाचें प्रशिक्षण दितात हाची दक्षता घेवप.

अध्यापन हो नैतीक दृश्टीन आनी बौद्धिक दृश्टीन खूब आव्हानात्मक वेवसाय आसा. नव्या शिक्षकांक खूब मेहनत घेवन पूर्व-तयारी करची पडटा आनी शिक्षकी पेशा मदीं आशिल्ल्या व्यक्तींक निरंतरी वेवसायीक विकास आनी शिक्षणीक आनी वेवसायीक सहाय्य गरजेचो आसता.

अ. शिक्षकांचे तयारी खातीर 4 वर्सांचो **एकीकृत केल्लो बॅचलर ऑफ** ऍज्युकेशन **कार्यक्रम** बहुशाखीय संस्थां मदीं पदवीपूर्व अभ्यासक्रमा मार्फत प्रदान करतात. ह्या अभ्यासक्रमा मदीं शिक्षणीक विशय आनी शिक्षक तयारी अभ्यास ह्या दोगांचोय आसपाव आसतलो. स्तरा प्रमाणें आनी विशया प्रमाणें आशिल्लो हो अभ्यासक्रम शालेयपूर्व (प्री-स्कूल) सावन माध्यमीक स्तर (बारावी येत्ते मेरेन) हे येत्ते खातीर आवश्यक आशिल्ली कला आनी खेळा वांगडा सगल्या विशयां खातीर शिक्षकांची पूर्व-तयारी करून घेतलो. वेवसायीक शिक्षण वा विशेश शिक्षण हांचोय लेगीत ह्या अभ्यासक्रमांत आसपाव आसतलो.

आ. 4 वर्सांचो बी.ऍएड्. अभ्यासक्रम हेर पदवीपूर्व पदवी समान आसतलो आनी 4 वर्सांचो बी.ऍएड्. अभ्यासक्रम पूर्ण करपी विद्यार्थी पदव्युत्तर (मास्टर्स पदवी) अभ्यासक्रमा खातीर प्रवेश घेवंक पात्र आसतले.

इ. सद्याचो 2 वर्सांचो बी.ऍएड्. अभ्यासक्रम 2030 वर्सा मेरेन उरतलो. 2030 वर्सा उपरांत फकत 4 वर्सांचो बी.ऍएड्. अभ्यासक्रम प्रदान करपी संस्थांकूच 2 वर्सांचो अभ्यासक्रम प्रदान करूंपाक मेळटलो. खंयचीय एक पदवी प्राप्त केल्ल्या विद्यार्थ्यांक हो अभ्यासक्रम प्रदान करतले.

ई. 2030 वर्सा उपरांत हेर खंयच्याय प्रकाराचे पूर्व-सेवा शिक्षक तयारी अभ्यासक्रम प्रदान करचे नात.

उ. शिक्षक शिक्षण फकत **बहुशाखीय संस्थां मदींच** प्रदान करतले. शिक्षणीक दृश्टिकोन, विशय आनी अध्यापन शास्त्र हांचो खोल सैद्धांतीक आकलना खातीर, तशेच सैद्धांतीक ज्ञान आनी प्रात्यक्षीक ज्ञान हांचे मदलो परस्पर मेळ दृढ जावपा खातीर विविध विशयां मदीं उत्तम प्रतीच्या पूर्व-सेवा शिक्षक तयारीक नैपुण्याची गरज असता. हे खातीर शिक्षणाच्या मुख्य क्षेत्रां मदीं आनी हेर सगल्या शिक्षणीक विशयां मदीं विविध तरेचे विशेशज्ञ उपलब्ध आसा आनी एकमेकां वांगडा जोडलेल्यो शाळा उपलब्ध आसप, ही काळाची गरज आसा.

ऊ.  हे मजगतीं दर्जाच्यो, **कार्यरत नाशिल्ल्यो** आनी मोडपाक पाविल्ल्यो शिक्षक शिक्षण संस्था बंद करतले.

# वेवसायीक शिक्षण

१. वेवसायीक **शिक्षणाक उच्च शिक्षणा मदीं पुनःएकीकरण करप** आनी वेवसायीक **शिक्षणाचें पुनरुत्थान** करप

**उद्देश:** सर्वोच्च दर्जाच्यो वेवसायीक क्षमता निर्माण करतनाच विस्तृत स्वरुपाच्यो योग्यता आनी 21व्या शेंकड्यां मदीं कौशल्यां, समाजीक-मानवी आशयाची जाण आनी प्रबळ नैतीक विचारसरणी अस्तित्वांत हाडपाच्या उद्देशान वेवसायिकांचे तयारी खातीर सर्वांगीण दृश्टिकोनाची सुरवात करप

वेवसायिकांचे पूर्व-तयारी मदीं नैतीकता आनी सार्वजनीक क्षेत्राचें म्हत्व हांचें शिक्षण, अभ्यासाच्या विशयाचें आनी संबंदीत फांट्यांचें शिक्षण, आनी प्रक्रिया पद्धतींच्या सरावाचें शिक्षण अंतर्भूत आसप आवश्यक आसा – हें घडपा खातीर वेवसायीक शिक्षण फकत थारावीक बाबतींत आत्मसात केल्ल्या विशेश ज्ञाना पुरतेंच घडून उपयोगी ना.

अ. वेवसायीक शिक्षण **एकंदर उच्च शिक्षण प्रणालीचो अविभाज्य भाग** आसतलो. हांगच्यान फुडें स्वतंत्र/एक-एकटी तंत्रिक विद्यापिठां, भलायकी शास्त्र/वैजकी विद्यापिठां, विधी आनी कृषि विद्यापिठां, वा ह्यो आनी हेर क्षेत्रांतल्या संस्थांची उबारणी बंद जातली. ह्या धोरणा प्रमाणें वेवसायीक वा सामान्य शिक्षण प्रदान करपी सगल्यो संस्था, 2030 वर्सा मेरेन दोनूय प्रकाराचें शिक्षण सोंपेपणान प्रदान करपा इतल्यो प्रगत आनी प्रगल्भ जावप आवश्यक आसा.

आ. **कृषि शिक्षणाचे** ताच्या संलग्न फांट्या वांगडा पुनरुज्जीवन करतले. जरी देशांतल्या एकूण विद्यापिठां मदलो अदमासान 9% विद्यापिठां हीं कृषि विद्यापिठां आसलीं तरी उच्च शिक्षणाचो विचार केलो जाल्यार कृषि आनी संलग्न शास्त्रां मदीं 1% परस कमी प्रवेश घेतात. चड कुशल पदवीदर आनी तंत्रज्ञ, नाविन्यपूर्ण संशोधन आनी तंत्रज्ञान आनी बऱ्यो पद्धती हांचे वांगडा जोडिल्लो बाजार आदारीत विस्तार ह्या सगल्या घटकांच्या आदाराचेर कृषि उत्पादन वाडोवपा खातीर कृषि आनी संलग्न फांट्यांची क्षमता आनी दर्जो सुदारप सामको आवश्यक आसा. सामान्य शिक्षणा वांगडा एकत्रीत केल्ल्या कार्यक्रमांच्या माध्यमांतल्यान कृषि आनी पशुवैद्यकशास्त्र ह्या क्षेत्रां मदीं वेवसायीक निर्मितीची **क्षमता** वाडोवपाची गती लक्षणीय दृश्टीन वाडयतले. स्थानीक ज्ञान, पारंपरीक ज्ञान आनी उदयोन्मुख तंत्रज्ञान हांचें आकलन करून तांचो योग्य वापर करपी आनी ताच्या बरोबर जमिनीचें कमी जावपी उत्पादन, वातावरणा मदीं बदल, आमचे वाडपी लोकसंख्येक पर्याप्त अन्नसाठो, आनी हेर ह्या गंभीर समस्यांची खोलायेन जाण आसपी वेवसायीक विकसीत करपा खातीर कृषि शिक्षणाची रचना बदलतले. कृषि शिक्षण प्रदान करपी संस्थांचो त्या जाग्या वयल्या स्थानीक **समुदायांक थेट लाभ** जावंक जाय. तंत्रज्ञानाची सुरवात करप आनी ताचो प्रसार करप ह्या आवश्यक गजालींक चालना दिवपा खातीर कृषि तंत्रज्ञान पार्क्सची उबारणी करप, हो एक दृश्टिकोन आसूं येता.

इ. **विधी शिक्षणाच्या** कार्यक्रमाची पुनर्रचना करतले. न्यायाचीं दारां सगल्या सामान्यांक सोंपेंपणान उक्तीं आसचीं आनी न्याय-निवाडो दीर्घकाळ चलत न-रावता, वेळार न्याय मेळचो हे खातीर विधी क्षेत्रांतल्या वेवसायीक शिक्षण जागतीक स्तराचेर स्पर्धात्मक, आनी सर्वोत्तम कार्यपद्धती आनी नवें नवें तंत्रज्ञान स्विकारपी आसूं जाय. तेच बरोबर हें विधी शिक्षण न्यायाच्या संवैधानीक मूल्यांक – समाजीक, अर्थिक आनी राजकीय मूल्यांक – जाणपी आनी तातूंतल्यान उजळून येवंक जाय. तशेंच लोकशाही, न्यायविशयक कायदे आनी मानवी हक्क हांचे उपयुक्ततेंतल्यान आनी अंमलबजावणींतल्यान राष्ट्रीय पुनर्रचना करपाचे दृश्टीन संयुक्तीक आसूंक जाय. **विधि शास्त्राच्या अभ्यासक्रमा मदीं** कायदेशीर विचारसरणी, न्याय तत्त्वां, न्यायशास्त्राचें अनुसरण आनी हेर संबंदीत साहित्य सामग्री पुराव्या प्रमाणें मांडटना तत्कालीन समाजीक – संस्कृतीक आशय लेगीत योग्यपणान आनी फावोशें प्रमाणान प्रतीत जावंक जाय.

राज्यान विधी शिक्षण प्रदान करपी राज्यांतल्या सगल्या संस्थांनी फुडारांतल्या वकिलांक आनी न्यायाधिशांक विधी शिक्षण **द्विभाशीय शिक्षण पद्धती प्रमाणें** प्रदान करपाचो गंभीर्यान विचार जावंक जाय. ह्या दोन भासां मदीं इंग्लीशी वांगडा तो अभ्यासक्रम ज्या राज्यान स्थित आसा थंयचे राज्यभाशेचो आसपाव  जावंक जाय. ह्या खातीर भाशांतराचे गरजेक लागून न्यायदाना खातीर जावपी विलंब कमी करूंक मेळटलो.

ई. **भलायकी सेवा शिक्षणा** मदीं म्हत्वपूर्ण बदल करतले. ह्या क्षेत्रा संबंदीत व्यक्ती जी भुमिका पार पाडटा त्या प्रमाणें भलायकी सेवा अभ्यासक्रमाचो कालावधी, रचना आनी आंखणी करतले. देखीक, दरेकी भलायकी सेवा प्रक्रिये मदीं/कार्या मदीं (देखीक. ईसीजी काडप वा वाचप) पात्रता पूर्ण केल्लो दोतोर गरजेचो नासता. सगल्या **एमबीबीएस पदवीधरां कडेन** फुडल्यो गजाली आसपाकूच जाय: 1) वैजकी कौशल्यां 2) रोगाचें निदान करपाचीं कौशल्यां 3) शल्यचिकित्साविशयक कौशल्यां आनी 4) आपत्कालीन कौशल्यां. मुखेलपणान प्राथमीक पांवड्यारवखद दिवप आनी दुय्यम ओश्पितलांत कार्यरत रावपा खातीर आवश्यक आसपी कौशल्यां खातीर थारावीक अंतरान काळजीपूर्वक थारायिल्ल्या निकशांच्या आदाराचेर विद्यार्थ्यांचें मूल्यमापन करतले. **एमबीबीएसचे पयलें आनी दुसरें वर्स विज्ञान** फांट्याच्या  सगल्या **पदवीधरां** खातीर **सामायीक कालावधी** आसतलो. त्या उपरांत विद्यार्थी तांचे आवडी प्रमाणें एमबीबीएस, बीडीएस, नर्सिंग वा हेर खंयचोय विशेश विशय निवडूंक शकतात. हेर वैजकी फांटे, देखीक. नर्सिंग, बीडीएस, इ. पदवीधरांक एमबीबीएस अभ्यास क्रमाक समांतर प्रवेश (लॅटरल एंट्री) घेवंक परवानगी आसतली. वैजकी शिक्षण पात्रताय आराखडो (मॅडिकल एॅज्युकेशन क्वॉलिफिकेशन फ्रेमवर्क) हे बाबतींत आवश्यक कारवाय करतलो. **नर्सिंग शिक्षणाचो दर्जो** वाडयतले, नर्सिंग आनी हेर उप-शाखां खातीर एक राष्ट्रीय मान्यताय समितीची (नॅशनल एॅक्रेडीटेशन बॉडी)

स्थापना करतले. आमच्या देशांतले लोक दुयेंत आसतना सादारणपणान **विविध प्रकाराच्यो वैजकी उपचार-पद्धतींचो आदार** घेतात. तेखातीर आमची वैजकीय शिक्षणीक पद्धती अशा विविध फांट्यांचें एकीकरण करपी आसूंक जाय. म्हणजे ऍलोपथी वैजकी शिक्षण घेवपी सगल्या विद्यार्थ्यांक आयुर्वेद, योग, निसर्गोपचार, युनानी, सिद्ध आनी होमिओपॅथी (आयुष) अशा हेर वैजकी शाखांचें मूलभूत ज्ञान आसूंक जाय. हीच गजाल वयर नमूद केल्ल्या हेर वैजकी शाखांच्या विद्यार्थ्यांकूय लागू जातली. तशेंच सगल्या प्रकाराच्या भलायकी सेवा शिक्षणा मदीं **प्रतिबंधात्मक भलायकी सेवा आनी सामुदायीक** वखदां हांचेरूय खास भर दिवंक जाय.

उ. **तंत्रिक शिक्षणा फुडें** विशिश्ट आव्हानां आसात कारण ही शाखा पूर्णतः ज्ञानाधिष्ठित ना आनी संपूर्णपणान कौशल्याधिष्ठितूय ना. तशेंच जशें तंत्रज्ञानाचो मानवजाती वयलो प्रभाव वाडत वतलो तसो तंत्रिक शिक्षण आनी हेर शाखा हांचे मदीं एकटें काम करपाची शैली बंद जातली. भविश्यांत खूब दसकां खातीर सगल्या क्षेत्रां मदीं उच्चविभुशीत लोकांची प्रचंड मागणी उरतली. पूण त्याच बरोबर नवकल्पना आनी संशोधन हांची चालना मेळपा खातीर उद्योगजगत आनी शिक्षणीक संस्था हांचे मदीं दृढ परस्परसहकार्य आसपाची गरज भासतली. सद्याच्या आनी भविश्यांत उपयुक्त थारतली अशा दोनूय पद्धतीं खातीर सुसज्ज आशिल्ले आनी उदयोन्मुख विज्ञान आनी तंत्रज्ञान हांचो पुरेपूर विनियोग करपी आनी ताच्या वांगडा बदलत्या समाजीक - अर्थिक आनी पर्यावरणीय आशया प्रमाणें आपले कृतींतल्यान प्रतिसाद दिवपी वेवसायीक तयार करपा खातीर अभियांत्रिकी आनी तंत्रज्ञान ह्या **कार्यक्रमां मदीं** सुदारणां करतले. विविध, खूब फावटी अनवळखी बाबतींत आपलें ज्ञान आनी कौशल्यां वापरपाचीं आनी वेवसायीक विचारसरणी आनी नितीतत्त्वां आत्मसात करपाची क्षमता विद्यार्थ्यां मदीं विकसीत जावंक जाय हे खातीर **अभ्यासक्रमाचें पुनरुज्जीवन** करतले. **नवी आनी उदयोन्मुख अभ्यास शाखांच्या**, देखीक आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स, बिग डेटा ऍनॅलिसिस, आनी हेरांच्या आसपावा विशीं **व्यूह रचनात्मक भर** दितले.

संस्थांक प्रदान करपी मान्यताय आनी मानांकन हे खातीर उद्योगजगत आनी अध्यापक वर्ग हांचे मदलें परस्परसहकार्य वाडूंक **प्रोत्साहन** मेळटलें आनी विद्यार्थ्यांचे औद्योगीक अणभवान भर पडून नवे-नवीन इंटर्नशिप संदी निर्माण जावपाचें प्रमाण वाडटलें.

राष्ट्रीय संशोधन फावंडेशन

## 1. दर्जेदार शिक्षणीक संशोधनाचो योग्य विनियोग करप

**उद्देश:** विद्यापिठां आनी महाविद्यालयां मदीं संशोधनाचें बीजारोपण जावन ताची वृद्धी जावपाच्या हेतून देश भरांतल्या सगल्या शिक्षणीक शाखां मदीं संशोधन आनी नवकल्पना हे बाबतींत चालना दिवप – स्पर्धात्मक सहयोग-पुनर्विलोकना मार्फत (पियर रिव्ह्यू) जावपी अर्थ पुरवठो, मार्गदर्शन (मेंटरिंग) आनी सुलभीकरण हातूंतल्यान संशोधना खातीर पोशक वातावरण निर्माण करप.

विशाल आनी चैतन्यमय अर्थ वेवस्थेचे वाढी मदीं आनी ती टिकोवपा मदीं, समाजाचो दर्जो वयर काडपा मदीं आनी राष्ट्राक अत्युच्च कामगिरी करूंक प्रेरीत करपा मदीं संशोधन आनी नवकल्पनेची अतिशय मध्यवर्ती भुमिका आसता. वातावरण, तंत्रज्ञान, लोकसंख्येचें चलन (पॉप्युलेशन डायनॅमिक्स) आनी अशा गजालीं मदीं संवसारांत झपाट्यान जावपी बदलां खातीर कणखर आनी सशक्त संशोधन प्रणाली अस्तित्वांत आसप अतिशय म्हत्वाची जाल्या.

अ. संसदेन कायदो संमत करून भारत सरकाराची एक स्वायत्त संस्था ह्या अर्थान नॅशनल रिसर्च फावंडेशनची स्थापना जातली. ताका20,000 कोटी रुपया (~ जीडीपीच्या 0.1%) इतलें वर्सुकी अनुदान दितले. फुडल्या दसकांत दर्जेदार संशोधना खातीर आशिल्ली देशाची क्षमता जशी विकसीत जातली, तशी हे अनुदानूय टप्प्या-टप्प्यान वाडयतले.

आ. ह्या फावंडेशनच्या प्राथमीक आवाक्यान सकयल दिल्ल्या गजालींचो आसपाव आसतलो:

- शिक्षणीक क्षेत्रां मदीं सगल्या शाखां मदीं जावपी संशोधनाक स्पर्धात्मक, सहयोग-पुनर्विलोकन (पियर रिव्ह्यू) पद्धतीन अर्थ-पुरवठो करप
- देशभर शिक्षणीक संस्थां मदीं संशोधन क्षमतेची बांदणी करप
- संशोधक, शासन आनी उद्योगजगत हांचे मदीं लाभदायी नातें संबंद निर्माण करप, जाचे वरवीं गरजेच्या राष्ट्रीय समस्यां बाबतींत प्राधान्यान संशोधन जातलें आनी संशोधनांतल्यान निश्पन्न जावपी अभिनव उपाय-योजना सगल्या सामान्य जनतेच्या लाभार्थ राबोवन तांच्या समस्यांचें निवारण करप
- विशेश पुरस्कार आनी परिसंवाद (सेमिनार्स) हातूंल्यान उत्कृश्ठ संशोधनाचो संमान करप

इ. ह्या फावंडेशना मदीं सुरवेक चार प्रमुख विभाग आसतले – विज्ञान, तंत्रज्ञान, समाजशास्त्र आनी कला आनी मानव विज्ञान.

## लक्ष केंद्रीत करपाच्यो अतिरिक्त म्हत्वाच्यो गजाली

## 1. शिक्षणीक तंत्रज्ञान

**उद्देश:** शिक्षकांची अध्यापना बाबतची पूर्व-तयारी आनी विकास हांच्या मजतीक; अध्यापन, अध्ययन आनी मूल्यमापन पद्धती सुदारप; वंचित गटांक मेळपी शिक्षणाची सुविधा सुदारप; आनी शिक्षणीक नियोजन, प्रशासन आनी वेवस्थापन हांचे मदीं ताळमेळ घडोवन हाडप अशा गजालीं खातीर शिक्षणाच्या सगळ्या स्तरार तंत्रज्ञानाचो आसपाव करप

१) अध्यापन, अध्ययन आनी मूल्यमापन पद्धती सुदारप; 2) शिक्षकांची अध्यापनाच्या पूर्व-तयारेक आनी तांच्या वेवसायीक विकासाक सहाय्य करप; 3) वंचित गटांक मेळपी शिक्षणाची सुविधा वृद्धिंगत सुदारप; आनी शिक्षणीक नियोजन, प्रशासन आनी वेवस्थापन हांचे मदीं ताळमेळ घडोवन हाडप अशा गजालीं खातीर शिक्षणाच्या सगळ्या स्तरार तंत्रज्ञानाचो आसपाव जाता कांय ना हाची दक्षता घेवप, हें ह्या धोरणाचें उद्दिश्ट आसतलें.

अ. तंत्रज्ञानाचे प्रेरण (इंडक्शन) म्हणजेच (पयली वापरप), उपयोजन (डिप्लॉयमेंट) आनी वापर करपाचे निर्णय प्रक्रियेन सुलभताय हाडप, ह्या उद्देशान **राष्ट्रीय** शिक्षणीक **तंत्रज्ञान मंच (नॅशनल ऍज्युकेशनल टॅक्नॉलॉजी फोरम)** नांवाच्या स्वायत्त संस्थेची स्थापना जातली. हे खातीर शिक्षणीक संस्था, राज्य सरकार आनी केंद्र सरकार हांचें नेतृत्व आनी हेर भागधारक (स्टेकहोल्डर्स) हांका अद्ययावत ज्ञान आनी संशोधन दिवून तांच्या वांगडा एकमेका लागीं आशिल्ले बरे कार्यपद्धतीं विशीं एकमेकां वांगडा चर्चा वा देवण-घेवण करपाची संद दितले.

आ. अंकीय संग्रह (डिजिटल रिपॉझिटरी), तंत्रज्ञानाच्या वापरा संबंदी शिक्षकांची तयारी, योग्यता प्राप्त सहाय्य आनी संशोधन हांचे मार्फत तंत्रज्ञानाचो शिक्षणीक प्रक्रियां मदीं (देखीक. अध्यापनशास्त्रा मदीं साधन म्हणजे भाशांतराचे सहाय्य, निरंतर वेवसायीक विकास घडोवप आनी ऑनलायन कोर्सेस, आनी हेर पुरवण करप) हांचो आसपाव जातलो. संशोधन कार्या खातीर आनी तंत्रज्ञानाच्या वापराक मजत जावपाक लागून शिक्षणीक तंत्रज्ञाना मदीं उत्कृश्टा केंद्रांची (सँटर्स ऑफ ऍक्सलन्स) स्थापना जातली.

इ. शिक्षणीक माहितीच्या राष्ट्रीय संग्रहा मदीं (नॅशनल रिपॉझिटरी ऑफ ऍज्युकेशनल डेटा) अंकीय स्वरुपान संस्था, शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांची सगळी माहिती जतन जातली.

१. वेवसायीक **शिक्षण**

**उद्देश:** शाळा, महाविद्यालय आनी विद्यापीठ अशा सगल्या प्रकाराच्या शिक्षणीक संस्थां मदीं वेवसायीक शिक्षणाचो आसपाव करप. 2025 वर्सा मेरेन सगल्या शिकाउ विद्यार्थ्यां मदले किमान 50% विद्यार्थ्यांक वेवसायीक शिक्षणाचो लाव दिवप.

हें धोरण भारतांतल्या वैविध्यपूर्ण कुशल लोकसंख्येचे पूर्ण क्षमते प्रमाण तांची प्रगती करपाक लागून 2025 वर्सा मेरेन शालेय आनी उच्च शिक्षण प्रणालींतल्यान किमान 50% विद्यार्थ्यांचो कौशल्य विकास करपाचें ध्येय आसा.

अ. फुडल्या धा वर्सांनी वेवसायीक शिक्षण सगल्या **शिक्षण संस्थां मदीं टप्प्या-टप्प्यान** आसपावीत जातले. कौशल्य त्रुटी विश्लेशण (स्किल गॅप एॅनॅलिसिस) आनी स्थानीक संदींचें मॅपिंग हांचे प्रमाणें कार्यक्षेत्रांक प्राधान्य दितले. तंत्रिक आनी वेवसायीक शिक्षण उदारमतवादी शिक्षणाच्या व्यापक दृश्टिकोनाचो भाग आसतले. वेवसायीक शिक्षणाच्या एकीकरणा खातीर आशिल्ली राष्ट्रीय समिती ह्या प्रयेत्नाचेर नदर दवरतली.

आ. हो बदल शिक्षणीक संस्था, तंत्रिक संस्था आनी उद्योगजगत हांच्या मदल्या परस्पर सहकार्यांतल्यान सुलभ पद्धतीन जातलो. एकीकरणा खातीर एका स्वतंत्र निधीची तरतूद जातली.

इ. प्रत्येक शिक्षणीक शाखा/वेवसायीक फांटो/पेशा खातीर '**राष्ट्रीय कौशल्य पात्रताय आराखडो**' (**'नॅशनल स्किल्स क्वॉलिफिकेशन्स फ्रेमवर्क'**) सविस्तरपणान विस्तृत जातलो. तशेच आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटणेच्या (इंटरनॅशनल लेबर ऑर्गनायझेशन) अधिपत्या खाला आशिल्लें आंतरराष्ट्रीय वेव्हसाय वर्गीकरण मानका प्रमाणें भारतीय मानकाक सुसंगत जातली. ह्या आराखड्याच्या आदाराचेर पयली **प्राप्त केल्ल्या अध्ययनाक अधिकृत मान्यताय** दितले. औपचारीक शिक्षण प्रणालींतल्यान मदींच भायर सरिल्ल्या विद्यार्थ्यांक तांच्या प्रात्यक्षीक अणभवाच्या आदाराचेर आराखड्याच्या संबंदीत स्तरा मदीं फुडल्या शिक्षणा खातीर पुनःप्रवेश दितले. ह्या आराखड्याक लागून सामान्य शिक्षण आनी वेवसायीक शिक्षण हांचे मदीं गतिशीलता हाडप सोंपें जातलें.

ई. 2030-25 वर्सा मेरेन **पदवीपूर्व स्तरांतल्या** वेवसायीक शिक्षण **एकूण विद्यार्थी प्रवेशाच्या** 50% मेरेन वाडयतले. उच्च शिक्षण संस्था स्वतंत्रपणान वा उद्योगजगताच्या सहयोगान विद्यार्थ्यांक वेवसायीक शिक्षण प्रदान करूंक शकतले.

उ. उच्च शिक्षण संस्था वेवसायीक शिक्षणाच्या **मॉडेल्स** मदीं आनी ऍप्रेंटिसशिपचे रचने मदीं गरजे प्रमाणें प्रयोग करूंक शकता. उच्च शिक्षण संस्थां मदीं उद्योगजगताच्या सहयोगान विद्यार्थ्यां खातीर प्रशिक्षण केंद्रां (इन्क्युबेशन सँटर्स) उबारतले.

१. **'लोक विद्या'**, म्हणजे भारतान विकसीत केल्लें ज्ञान, विद्यार्थ्यांक वेवसायीक शिक्षण अभ्यासक्रमा मदीं एकीकरण करून प्रदान करतले.

**प्रौढ शिक्षण**

**उद्देश:** 2030 वर्सा मेरेन युवा आनी प्रौढ साक्षरता दर 100 % मेरेन आत्मसात करप आनी प्रौढ शिक्षण आनी हेर शिक्षणीक उपक्रम/कार्यक्रम हांचो लक्षणीय दृश्टीन विस्तार करप

साक्षरता आनी मूलभूत शिक्षण व्यक्तीगत, नागरी, अर्थिक आनी आजीवन अध्ययन संदी मदल्या व्यक्तीचो सहभाग सक्षम करता – हो प्रत्येक नागरिकाचो अधिकार आसा. पूण, आमच्या युवा आनी प्रौढ लोकसंख्येचो अविश्वसनीय दिसतलो इतलो मोठो भाग आजुनूय निरक्षर आसा.

अ. फुडल्या पांच व्यापक कार्यक्षेत्रांचे दृश्टीन प्रौढ शिक्षणा खातीर राष्ट्रीय अभ्यासक्रम आराखडो (नॅशनल क्युरिकलम फ्रेमवर्क) विकसीत करतले – मूलभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान, अत्यावश्यक जीवन कौशल्या, वेवसायीक कौशल्या, मूलभूत शिक्षण आनी निरंतन शिक्षण. ह्या आराखड्याक सुसंगत अशा प्रकाराची मुल्यमापनाच्या आनी प्रमाणनाच्या निकशां सयत पाठ्य-पुस्तकां आनी अध्ययन साहित्य सामग्री विकसीत करतले.

आ. प्रौढ शिक्षण केंद्रांतले वेवस्थापक आनी निर्देशक हांचो **संवर्गा**क आनी तांच्या वांगडा राष्ट्रीय प्रौढ शिक्षण अध्यापक कार्यक्रमाच्या (नॅशनल ऍडल्ट ऍज्युकेशन ट्युटर्स प्रोग्रॅम) माध्यमांतल्यान तयार केल्ल्या व्यक्तीगत अध्यापकांच्या मोठ्या संघाक प्रौढ शिक्षण कार्यक्रम प्रभावीपणान राबोवपा खातीर कार्यान्वित करतले.

इ. वांटेकार जाल्ल्या उमेदवारांच्या शोधना खातीर सद्याचो **दृश्टिकोन** आनी **कार्यक्रम** वापरतले. समुदाये मदल्या स्वयंसेवकांक ह्या खातीर प्रोत्साहीत करतले. समुदायेंतल्या प्रत्येक साक्षर वांगड्याक किमान एका निरक्षर व्यक्तीक वाचपाक-शिकोवंक प्रवृत्त करप, ही म्हत्वाची व्यूह रचना आसतली. हे विशीं **व्यापक स्वरुपांत जन-जागृती** करतले. बायलां **साक्षरते**चेर खासा भर दितले.

## २. भारतीय भासांक चालना

**उद्देश:** सगल्या भारतीय भासांचें संवर्धन, वृद्धी आनी चैतन्य अबादीत उरतलें हाची दक्षता घेवप

आदिवासी भासां सयत सगल्या भारतीय भासांक जेन्ना योग्य संमान मेळटलो तेन्नाच देशांतल्या प्रत्येक प्रदेशाचे संस्कृतीचें आनी परंपरेचेंखऱ्या अर्थान संवर्धन जातलें आनी शाळेन सगल्या विद्यार्थ्यां कडल्यान ताचें आकलन जातलें. अशे तरेन मुळांतूच समृद्ध आशिल्ल्या भारतीय भासांचें आनी साहित्याचें संवर्धन करप सामकें आवश्यक आसा.

अ. देश भरांतल्यान भारतीय भासो आनी साहित्य हांचे सक्षम कार्यक्रम राबोवप, भाशा शिक्षकांची आनी अध्यापकांची भरती, एकाग्रतेन केल्लें संशोधन आनी शास्त्रीय भासांक चालना ह्या उपक्रमां वरवीं भारतीय भासो, साहित्य आनी शास्त्रीय शब्दकोश हांचेर लक्ष केंद्रीत करतले.

आ. शास्त्रीय भासो आनी साहित्य हांकां चालना दिवपाक अस्तित्वांत आशिल्ल्या विद्यमान राष्ट्रीय संस्थांचें सबलीकरण करतले. पाली, फार्सी आनी प्राकृत भासां खातीर राष्ट्रीय संस्थेची स्थापना जातली.

इ. देश भरांतल्यान एकसमान विनियोगा खातीर उपयुक्त थारतली ह्या हेतून एक शब्दकोश विकसीत करपा खातीर अस्तित्वांत आशिल्ल्या शास्त्रीय आनी तांत्रिक परिभाशा आयोगाच्या उपक्रमाचें नुतनीकरण करतले आनी तातूंत फकत भौतीक शास्त्रांचेंच न्हय तर सगल्या शिक्षणीक विशयांचो, फांट्यांचो आनी क्षेत्रांचो आसपाव करपाक लागून ताचो व्यापक स्वरुपात विस्तार करतले.

# राष्ट्रीय शिक्षण आयोग

## 1. शिक्षणांत परिणामकारी बदल: राष्ट्रीय शिक्षण आयोग

**उद्देश:** एका नव्या राष्ट्रीय शिक्षण आयोगाच्या अधिपत्या खाला दूरदृश्टीन अंमलबजावणी मेरेन दरेके बाबतींत सगळया स्तरांचेर न्याय्यता आनी सर्वोत्तमता दिवपा खातीर भारतीय शिक्षण प्रणाली परस्पर सहयोगान कार्यान्वित करप

भारतीय शिक्षण प्रणालीक अशें प्रेरणादायी नेतृत्व/फुडारपण जाय जें हातांत घेतिल्लें विधायक कार्याची सर्वोत्तम अंमलबजावणी मेरेन करतलें.

अ. प्रधानमंत्रीचे अध्यक्षते खाला सर्वोच्च समिती ह्या नात्यान 'राष्ट्रीय शिक्षण आयोग' वा 'द नॅशनल ऍज्युकेशन कमिशन'ची स्थापना केली.

आ. केंद्रीय शिक्षण मंत्री ह्या आयोगाचे उपाध्यक्ष आसतले आनी आयोगाच्या दीसपट्ट्या कामकाजा खातीर थेट जबाबदार आसतले.

इ. ह्या आयोगांत ख्यातनाम शिक्षणतज्ज्ञ, संशोधक, केंद्रीय मंत्री, राज्यांचे मुख्यमंत्री आनी विविध क्षेत्रांतले फामाद तशेच फाकिवंत  वेवसायिकांचे  प्रतिनिधींचो आसपाव आसतलो. ह्या आयोगांतले सगळे वांगडी सामके निश्ठेन आनी संबंदीतत क्षेत्रांतले सार्वजनीक रितीन बहुमूल्य योगदान दिल्लें आसतलें आनी वयले व्यक्ती  निर्विवाद सचोटीचे आनी स्वतंत्र विचार-सरणीचे आसतले.

ई. हो आयोग **भारतांतलो शिक्षणाचो परिक्षक (कस्टोडियन)** आसतलो. हो आयोग आपल्या समाजांतल्या वैविध्याचें जतन करतना शिक्षणा विशीं एकीकृत राष्ट्रीय दूरदृश्टी निर्माण करतलो. वयलो आयोग सगळया संबंदीत कृतीकारक घटक आनी राष्ट्रीय, राज्य आनी संस्था पांवड्या वयल्या फुडाऱ्यां कडल्यान प्रभावी आनी समक्रमीत (म्हणजे परस्परांत समन्व.य आशिल्लो) दृश्टिकोन आनी कृती घडोवन हाडटलो.

उ. कामकाजांतलें समन्वय आनी सुसूत्रता अबादीत राखपा खातीर वयलो **आयोग** सगळया **राज्यां** वांगडा **बारकायेन** आनी **दक्षतेन कार्यरत** आसतलो. राज्य सरकार आवश्यकते प्रमाणें राज्य पांवड्यार उच्च समिती नेमूंक शकतलें. असले समितीचें नांव  'राज्य शिक्षण आयोग' वा 'द स्टेट ऍज्युकेशन कमिशन' अशें आसतलें.

# शिक्षणा खातीर आर्थिक सहाय्य / पालव

1. **शिक्षणा खातीर आर्थिक सहाय्य / पालव**

अ. वयलें धोरण शिक्षणीक गुंतवणूक वाडोवपा खातीर वचनबद्ध आसा कारण तातूंत विश्वास आसा की, समाजाच्या भविश्याचो एकत्र रितीन विचार करपी समाजाच्या सर्वांगीण लाभा खातीर शिक्षणा परस चड उपयुक्त वा सुयोग्य अशी दुसरी कसलीच गुंतवणूक अस्तित्वांत ना.

आ. ताका लागून फुडल्या 10 वर्सांचे **कालावधीत केंद्र** सरकार आनी सगळया **राज्य** सरकारान ह्या दोगांय कडेन **शिक्षणक्षेत्रां**त जावपी सरकारी **गुंतवणूक** 20% मेरेन वाडोवपाची **परिकल्पना** वयल्या धोरणांत मांडाल्या.

इ. अध्ययन साधन-सामग्री, विद्यार्थ्यांची सुरक्षा आनी निकोप विकासा खातीरच्यो आवश्यक गजाली, पोशण-विषयक सहाय्य, फावोसो अध्यापकवर्ग, शिक्षक विकास आनी वंचित गटां खातीर आनी कमी प्रतिनिधित्व आशिल्ल्या गटां खातीर न्याय्य आनी उच्च दर्जाचें शिक्षण उपलब्ध करून दिवपी सगळया उपक्रमांक सहाय्य अश्या म्हत्वपूर्ण घटकां खातीर आवश्यक आशिल्ल्या अर्थ सहाय्या विशीं कसलीच तडजोड करचे नात.

ई. वयलें धोरण शिक्षण क्षेत्रांत खासगी स्वरुपांत फुडाकार घेतिल्ल्या (परोपकारी) उपक्रमांचें पुनरुज्जीवन, सक्रीय प्रचार आनी सहाय्य करपा खातीर सगळयांक आवाहन करता. खंयच्याच शिक्षणीक सत्कार्या खातीर नफाविरहित तत्वांचेर संपूर्ण भौसाच्या हितान निधीचो विनियोग सद्याच्या संस्थांच्या म्हत्वपूर्ण गरजो भागोवपा खातीर करतले.

उ. सुरवेक एकदांच, मुख्यतः पायाभूत सुविधे खातीर (इन्फ्रास्ट्रक्चर) आनी साधन-सामग्री खातीर, करपा खातीर लागपी खर्चा अतिरिक्त फुडल्या म्हत्वाचे गजालींत **अर्थ सहाय्य** लागतलो अशें वयल्या धोरणांतल्यान कळून येता: 1) प्रारंभीक बाल्या वस्थेंत शिक्षणाचो विस्तार आनी सुदारणां, 2) पायाभूत साक्षरता आनी अंकज्ञान साध्य जाता हाची खात्री, 3) शालेय संकुलांनी फावोशे वा योग्य साधन-सामग्रीचो पुरवठो, 4) अन्न आनी पोशण (नाश्तो आनी मदले सुटयेचें जेवण), 5) शिक्षक शिक्षण आनी शिक्षकांचो निरंतरी वेवसायीक विकास, 6) महाविद्यालयां आनी विद्यापिठांनी लक्षणीय सुदारणां, आनी 7) संशोधन.

ऊ. निधींचो तरल, वेळा प्रमाणें वा योग्य पुरवठो जातलो आनी तांचो विनियोग सचोटीन जातलो हाचेर सरकार आनी वेवस्थापन खासा भर दितलें. वयले गजालीचेर भुमिकांचें सुस्पश्ट विलगीकरण, संस्थांचें सबलीकरण आनी तांकां दिल्ली स्वायत्तता, नेतृत्वयोग्य भुमिका आनी सुज्ञ पर्यवेक्षण हांकां प्रभावी लोकांची नियुक्ती अशा उपाय-योजनां वरवीं साध्य करतले.

ऋ. 'सुटसुटीत पण कडक' विनियमन दृश्टिकोन, सरकारी शिक्षणांत मुबलक गुंतवणूक, आनी पारदर्शक सार्वजनीक माहिती प्रकटना सयत उत्तम अनुशासना खातीर उपयुक्त यंत्रणा सयत बहुविध संबंदीतत आघाडे वरवीं **शिक्षणाच्या** वेपारी**करणाची** गजाल वयल्या धोरणांत हाताळ्ळया.

## 1. फुडारांतली वाटचाल

शिक्षणा कडेन संबंदीत सगळ्या घटकांत वा समितींत नियोजन आनी सूत्रबद्धता हे विशीं सुसंगती अबादीत उरून वयल्या धोरणाची अंमलबजावणी तातूंत अभिप्रेत आशिल्ल्या आत्मीयतेन आनी उद्देशान जाल्ल्याची खात्री जावची म्हूण वयल्या धोरणांत विविध समिती वरवीं करपी म्हत्वपूर्ण कृती, ते खातीर अपेक्षीत आशिल्लो कालावधी आनी पुनर्विलोकनाचो आराखडो मांडला.

मानव जातीच्या दरेकी युगांत मनशाच्या सगळ्या पूर्व-पिळ्यांनी जें किदें निर्मिल्लें आसा, तें ज्ञानांतल्यान मांडिल्लें आसा.
तातूंत मदीं येवपी नवी पिढी, स्वताच्या योगदानाची भर घालता.

मोबिअसच्या पट्टीचे तत्त्व ज्ञानाच्या शाश्वत, विकसनशील आनी जिवंत स्वरुपाचें प्रतीक आसा
- जाका आरंभ ना आनी शेवटूय ना.

ह्या सातत्यपूर्ण प्रयत्ना वरवीं ज्ञानाची निर्मिती, संक्रमण, विनियोग आनी प्रसारण करप, ही ह्या धोरणांची परिकल्पना आसा.